साहित्य आस्वाद

(प्रस्तावनांचो संग्रह)

शरतचंद्र शेणै

साहित्य आस्वाद

(प्रस्तावनांचो संग्रह)

शरतचंद्र शेणै

Konkani

SAHITYA ASWAD

(Collection of Forewords)

Author

Saratchandra Shenoi

(saratchandrashenoi@gmail.com)

Publisher

Disha Institute of Konkani

18/535 A, GOKUL, Ayyappa Seva Sangham Road

Palluruthy, Kochi - 682006

© Saratchandra Shenoi

E-book : 2024

साहित्य आस्वाद

1993 वर्सा एका कथासंग्रहा खातीर हांवें म्हजी पयली वयली प्रस्तावना बरयल्ली. पूण त्या पुस्तकाक चड अनुयोज्य अशी एक प्रस्तावना सर्गेस्त पी. जी. कामत हांचे कडल्यान मेळिल्ल्यान हांवें बरयल्ली प्रस्तावना फायलींतच उरली. उपरांतच्या काळांत ती मागीर शेणून गेलीय.

देखून 1994 वर्साच्या सर्गेस्त श्री. पी. एन. शिवानंद शेणै हांगेल्या कविता संग्रहाक हांवें बरयल्ली 'कवीची वळख कविता' शीर्षक प्रस्तावना म्हजी पयली प्रस्तावना जावन उजवाडा आयली.

ती धरून 2024 वर्सा उजवाडा आयिल्ल्या श्री. एन. बालकृष्ण मल्या हांगेल्या 'सत्याचीं किरणां' शिर्षक कविता संग्रहाक बरयिल्ली मेरेन जावन अठरा प्रस्तावना हांगा संग्रहीत केल्यात. हीं पुस्तकां म्हणल्यार आट कथासंग्रह, आट कविता संग्रह, एक कादंबरी आनी एक प्रवासवर्णना. हातूंतल्यो चार प्रस्तावना वेंचून हांवें म्हज्या 'रसिक रसायन' शिर्षक गद्यसंग्रहांत (2019) उजवाडायल्यात. जाल्यार त्या संग्रहांत इतर तराचे स्वतंत्र लेखय आसात.

हो संग्रह म्हज्या प्रस्तावनांकच ओंपिल्लो आशिल्ल्यान वयल्यो चार सयत अठराय प्रस्तावना आतां हातूंत संग्रहीत केल्यात. हाचे भायर श्री. उदय नरसिंह म्हांबरो हांगेल्या 'काळीज उसवलां' ह्या लेख संग्रहाविशीं बरयिल्लो एक पुस्तक परिचय बी हातूंत आस्पावन घेतला. साहित्य रसिकांक हो संग्रह आवडटलो आनी एकदां उपेगाक पडटलो अशी आस्त बाळगितां.

- शरतचंद्र शेणै

मांडावळ

✯	साहित्य आस्वाद	3
1	कवीची वळख कविता (1994)	5
2	काव्याक्षरांचीं अक्षतां (1997)	9
3	आखाड्यावयलो येवकार (1999)	13
4	काव्यसंवसार (2000)	16
5	उपपद (2002)	19
6	कथापूर्व (2005)	21
7	काण्यो सरतना उदेताय चिंतनां (2008)	24
8	एक साहित्योपहार (2010)	26
9	अनन्य जिणेची अभ्रेकणी (2010)	27
10	उजवाडाचें ताट (2012)	32
11	भुरगेपणाच्या आंगणांत (2013)	34
12	हो हारसो फटयना (2015)	37
13	ध्येय तेंच श्रेय (2018)	40
14	दोन उतरां (2018)	42
15	काव्यकांती (2018)	43
16	सत्यनिष्ठेचीं आत्मगतां (2019)	45
17	मातसो वेगळोसो एक सांकोव (2020)	47
18	जीवन स्पंदनां.. जीवन दर्शनां.. (2024)	51
✯	एका संवेदनशील काळजाची उगडास भोंवडी (2021)	54

कवीची वळख कविता

(श्री. पी. एन. शिवानन्द शेणै हांगेल्या 'चांगपणाची सांत' शीर्षक कवितासंग्रहाक 1994 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना.)



कवीची वळख ताजी कविता. कवितेचे आनी आस्वादकाचे मदीं येवप बरें न्हय. कित्या म्हळ्यार, कवितेचें आनी आस्वादकाचें नातें एक म्हत्वाचें नातें. देखून तुमी आदीं कविता वाचच्यो, रुचच्यो आनी मागीरच म्हज्या ह्या उत्तरांकडे ध्यान दिवचें. अशी म्हजी मागणी.

म्हण आसा 'साधारण मनशानी पळोवनातिल्लें पळोवंचो आसा कवि, आनी आयकनातिल्लें आयकुचो'. म्हण्येंत एक गुपित आसा, एक म्हत्वाचें सत्य. साधारण सामान्य मनीस आपण्याक सायनतिल्याकडे पळयना. भोवतेक गजालींकडे जाणुनूच तो दोळे आड धरता. रूचनातिल्या वास्तवां मुखार तो केप्पो भेड्डो जाता. साहित्यकार ह्या तराचें मोहक वरदान तिरस्कारता. तेंच न्हय, वाचकांलें दोळ्यांचें तिमिर तो उसळावंक सोदताय. आधुनिक साहित्यकार अशे घोषणा करता - 'दिसा उजवाडें निदेवंनाकात. पायांबोटां मेजून बेसून कुरवूंनाकात.'

हांगा प्रसक्त दिसतात लंडनाचे डिटक्टीव शेरलोक होम्स हांचीं उतरां - 'साबाव वीक्षण करप व्यर्थ वावर आसता. आमी निरीक्षणच करूंक जाय.' श्री. शिवानन्द शेणै निरीक्षण करपी. सत्यार्थी आनी सत्यभाषी. अप्रूप वस्तूंकडे वाचकांली श्रद्धा वळोवन, तांचे दोळ्यांखातीर चिरनवीन दृष्टिकोण निर्मिता हो कवि.

शिवानन्द शेणैली कविता एक 'प्रिसम' (PRISM) कशी. व्यक्तिजीवितांतल्या, मनीस समाजांतल्या, सौमांतल्या आनी पुराणांतल्याय आगळ्या वेगळ्या सूक्ष्मांशांचीं कितलिशींच रंग रंगयाळीं चित्रां तातूंतल्यान आस्वादकांल्या दोळ्यांमुखार शिंपडून पडटात.

'किरकिर' ह्या आपल्या पयल्या कविता संग्रहांत हांणी केरळच्या साधारण जनांल्या जीविताचीं निजीं चित्रां रचिल्लीं. हताश मनांचीं खळसां निर्शेणी उक्तायल्ली. प्रतिकूल परिस्थितींकडे आमी प्रतिक्रिया करूंया अशें आह्वान दिल्लें. त्या संग्रहांतल्यो कविता एकठांय करतना एक समग्र तशें चित्र मेळटा. दक्षिण केरळच्या कोंकणी समाजाचें तें पडबिंब आसा -

देवळांतली दूषणां, कामेल्याचीं भूषणां..
घरांतलीं बरेपणां, ब्राह्मणांलीं खरेपणां..
काणी सांगची आज्जी, तेल सरलेली दिवली
रेशनाचें क्यू, पोटांतली भूक, मनांतलीं स्वप्नां, हर्द्यांतलो धीर..
एक आवस, पुताक सत्य शिकोवंची
एक आवस, धुवेक वाट चुकोवंची..
एक मागणी देवागेर - "यो यो यो, ह्या कुळाव्यांक राक!"
एक शिटकावणी पुताक - "चूक आपडून दाखोवंचाक नज तरी बोट कित्या रे तुका?

तशी आस्वादकांक उत्सूक करूंक फाव तें सगट शिवानन्द शेणैल्या त्या संग्रहांत मेळटा. ह्या नवे कविता संग्रहांत तरी कवि प्रवासी जाला. गोंय पळोवन आयला (1990). गोंयांकडे एक आपलेपणाची निजी ओड ताका अणभवल्या. देखुनूच सद्याची तिजी आवतिकाय ताजे अंतस्कर्णाक घुसमटायता. 'गोमन्तक 90' हे कवितेंत तांगेले वीक्षणविशेष विस्तारान विवरसिला -

मडगांवचें परणें बस स्टेशन.. एक वृद्धवृक्ष.. एक म्हातारी आज्जी.. टावरिनांतलें *कोकटेल*.. रानांतलें एक अनाथ शव.. एक फुटल्लें पूल.. इतिहासाचे उडगास आनी अवशिष्ट कुटके...

अशी तिकसाण, मिटसाण, गोडसाण, आंबसाण, सगट ह्या संग्रहांत मेळटा. वास्तवाचें चित्र दिसता काळें आनी खरखरें (गोमन्तक एक आनी इखरा). धवीं शुभ्र चित्रां आसात विनोदी व्यंग्याचीं (उपदेश, फरक) आनी उपहासाचीं (निष्टा, हांव कुरवंता). थंड तत्वज्ञानाचीं हळडुवीं चित्रां (कीर काणी सांगता, आषाढांतलो पावस). आखांताचीं, हुसक्याचीं गाढ़ तांबडीं चित्रां (चरित्र, सुक्कें सीत). हांच्या वांगडां आसात सप्तरंगी सपनांचीं चित्रांय (स्वप्न, पूत, सीतेलें स्वप्न).

एक घडियेक एक माड्याचीं नष्टस्वप्नां पळेत स्तब्द, मूक, काकुळवंत राबिल्लो कवि, मागीर स्वर्गदारांतल्यान खालाची नरकपीडा पळोवन हांसूक सोदता. वड्डी परतूंक कष्ट काडून हारी खाता. मनांतल्या सत्याच्या कीरालागी झगडटा. हे चांगपणाचे सांतेंत सुक्कें सीत धरून आषाढांतलो पावस मेरेन मेळटा. धा वर्सां आदीं हांणी सांगिल्ली ती हांगाथंय जाल्ल्या एका कुटूम्बाची कथा (किरकिर) जाल्यार आतां तो सांगता विखंड जाल्ल्या एका समाजाची व्यथा (गोमन्तक णव आनी धा).

चिन्तन केल्यार कळटा कीं केरळची कोंकणी कविता खूब काळांक भक्तींत मग्न आशिल्ली. 'गोड्डे रामायण', 'वेंकटेश कल्याण' असलीं परणीं विशिष्ट काव्यां आमकां मेळ्ळीं. पूण सामाजीक इतिवृत्ताच्योय कविता आदीं थाकून हांगा आशिल्यो. दृष्टांत आसात 'वळार', 'भोवूळ गाय', 'श्रावोण' असलीं कथात्मक काव्यां. ह्यो गजाल्यो भोव परण्यो.

वीसावे शतकाचे तिसरे दशकांत हांगाचें कोंकणी साहित्य जेन्ना ताज्या लांब न्हिदेंत साकून जागें जालें, तेन्ना ताजे यादींत फक्त भक्तिभाव उरिल्लो. सुन्दर, मनोहर, छन्दमय, संगीतसज्ज तसलीं जायतीं काव्यां, कीर्तनां आनी गीतां त्या वेळार उपजलीं. दृष्टांत आसात 'रघुरामायण', 'कुचेलोपाख्यान', 'सत्यनारायणकथा' आदी गेयकृती. त्या कालाचे कवींनी सादे सोपे आशय सरळ उतरांनी सादर केल्ले. मागीर मागीर नाटकां खेळोवंक लागले तेन्ना मस्त विनोदी पदांय उपजलीं.

तरीय भावात्मक म्हणूयात तसली कविता, अंतरस्पर्शी उतरांची, उत्कट अणभव चितारपी, श्रेष्ट विचार प्रगटावपी, आत्मनिष्ट कविता हांगा देखूक सुरू जालेली कांय तीस चाळीस वर्सां आदीं साकून मात्र. कोचीच्या 'कोंकण जनता' नेमाळ्याचेर एकेकदां तसली हृद्य कविता छापून येताल्यो. तसल्यांतलो एकलो कवि हो जाल्यार दूसरो आसा कोचीचो श्री. आर. एस. भास्कर. आपण्याल्या 'अक्षरां' संग्रहांतल्यान आपूण एक तांकीवंत कवि अशि ताणे दाखयल्यां. ह्या दोग समकालीन कवींचे कवितेंत कसली साम्यता आसा, कसले भेद आसात तें पळोवंया -

'सगळे लोकांतय कितेंय जावो, कोणूय मरो, कोणूय मारो, म्हाका कितें? हांव सुस्त एक निदेतां!' अशि तरी कोणाक निदेवंक सोडनात हे दोगांय कवि. कुरवंतल्यांक हे जगयतात. दोळे घष्टून चोयवशीन पळोवंक प्रेरणा दिता हांची कविता. साम्यता आसा ती ही.

आमी आतां कल्पना करूंया कीं हांच्यो कविता जाल्यो रंगयाळीं चित्रां. तेन्ना शिवानन्दाले कवितेंत दिसतले गाढ रंग, आनी भास्कराले कवितेंत हल्के. आमी हांच्यो थोड्यो कविता जिबेक लावन रूचल्यो जाल्यार, भास्कराली कविता मिरसांगेचो आस्पाव कळयतली आनी शिवानन्दाली कविता एकदां जीब हुलपायतली. जरी हे दोगांय संगीतज्ञ जाले तरी, भास्कर सितार हाताळटा दिसतलो आनी शिवानन्द फिडल. ह्याच सारखो भेद हांच्या कवितेचोय. म्हणूंयेता कि तो सैमाचो पुजारी आनी हो सत्याचो झुजारी. आनी नवे कवितेचे, दोगांय फुडारी!

फुडारी लोक एकाकी लोक. फुडें वतल्यांचे लागीं कोणूय आसप विरळ आसता. जाल्यार हातूंत ह्या कवीक कसलोय खेद दिसपाक कारण ना. ताका कळटा -

"एपिळ खांवचाक लागीं कांय नाका
उदाक पिवंचाक लागीं कांय नाका
आनी
चांगपणाक लागीं कोण नाका."

असल्या ह्या एकमुळ्या कवीक म्हजीं परबीं आनी आशंसा.

श्री. पी. एन. शिवानन्द शेणै हांकां 2011 वर्सा 'कविता ट्रस्ट' (मंगळूर) हांणी आयोजीत केल्लो **मथायस कुटम कविता पुरस्कार** प्राप्त जालो.

काव्याक्षरांचीं अक्षतां

(श्री. आर. एस. भास्कर हांगेल्या 'अक्षतां' शीर्षक कवितासंग्रहाक 1997 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना.)



जीवितांत एकदां आठयनासतना एक असलो दीस उदेता - सकाळीं दोळे उगडटनाच ताचें खाशेलेंपण आमकां आपशींच अणभवता. रोखडींच आमी पूर्णतायेन जागेर येतात. एक नवेंचशें तरणेपण भासता. तरातराच्या फुलांचो असो सुवास! सवण्यां सुकण्यांचो गोड आवाज! उदयसूर्याचें मोवाळें वोत भांगराचें कशें दिसता. रूख, रुखावळ, माड, सरशी, फूल, पाकळी, अशी भोवंतणेंतलें सगलेंय एक अनोखें नवेंपण घेवन, खास करून आमकांच पळयत हासून कशी रावता. आनी अवचीत आमच्या ओंठार एका पोरन्या गीताची धून फुलता...

श्री. भास्कर हांच्यो कविता असल्या दिसांची म्हाका अश्रेकण भोगयतात. हांच्यो चडशो कविता असल्याच दिसांनी जाल्यो जावंक जाय अशें हांव आठोवंक लागलां.

हो कवि दर खिणा जियेवपी. हांची जागृताय आठय यामांची. हांच्या काव्याची मात्शी पाणी पियेवंची आनी पळयल्यार सैम आपलीं आगळीं वेगळीं रूपां आमच्या दोळ्यां मुखार सादर करता.

'हें म्हजें गायन अखेरेचें..' अशें सुस्कारपी सवणें आमकां दिसता.

'उमाशे वेळार, चान्न्या बगर, गळून गळून रडपी' एक साळीक आमच्या काळजाक हात लायता.

फूल म्हळ्यार कितें?

सवणें म्हळ्यार कितें?

आकार? तरातराचो रंग? खाशेलो वास? खाशेलो साद? हें सगलें एकठांय केल्यार पुरो व्हय?

ह्या कवीक फुलांचो सवण्यांचो आत्मो दिसता. तांच्यो खोशी, निर्शेणी, आत्मालाप, कवि बरे भशेन समजता. रांदनींतलें जळपी लांकूड लेगीत हांचे वळखीचें. कवि ताका काकुळटकायेन म्हण्टा - ' तूं जळ, ना तर म्हजें पोट जळटलें..'

फांतोडेर, फुलाचे पात्येर एक दंवा कण - ध्यानार बशिल्या एकाद्या ऋषी वरि. आनी त्या दंवाकणाच्या काळजाच्या हारशांत सगलें मळब, सगली धर्तरी..

ह्या कवितांचेंय खाशेलेंपण अशें. ह्यो ल्हान. आनी ल्हान म्हणुनूच विश्वाक वेंग मारपी. काव्याक्षरांचीं हीं 'अक्षतां', उतरांचो पावस न्हय. उतरांचो पावस घालपाची तर हया कवीक संवयच ना.

नोबेल पुरस्कृत, विश्वख्यातीचे कादंबरीकार 'अर्नेस्ट हेमिंग्वे' हांणी आपल्या 'ओल्ड मॅन अंड द जी' ह्या सुप्रसिद्ध कादंबरी विशीं म्हळें - 'ह्या पुस्तकांत एका म्हाताऱ्याची कथा जशाची तशीच आसा. हे कथेक, जाय तर कितलींय तासां दिवंक शकतालों, पूण तीं कायंच खंयच सुचोवंक लेगीत ना. हें अशें मुद्दाम केलां, हातूंत चड तासां पळोवपाचें आनी हाका नवे आयाम दिवपाचें स्वातंत्र्य वाचप्याकूच दितां.'

खरो कलाकार तो असो.

हे नदरेनय श्री. भास्कर हांगेल्यो कविता आमी नियाळूंयेतात. 'काळें कूप' वाचतना कळटा; आपल्या काळजांतलें सगल्याचें सगलेंय ते सांगनात. आत्माविष्काराचो हो एक कलात्मक प्रकार. बरयल्या उतरांच्या भितरूच रावल्यारय हांच्या कवितांचें रसास्वादन बरे भशेन शक्य आसा. आनी मागीर आपली चिंता आनी कल्पना त्या उतरांच्या भायर पसरावंक आशिल्लो हक्क वाचप्या खातीर सांबाळून दवरलोय आसा.

हो कवि जितलो पक्कमती तितलोच पक्कभाषीय. थंड दिमागीची एक बरी परिपक्कताय हांच्या कवितांनी दिसता. मनीसजिणेच्या मळबार दाटून आयिल्या 'काळ्या काळया कूपांचो' परामर्श करीत आसतनाय, एका बऱ्या भविश्याची अचल अपेक्षा, भांगरा देग कशी हांच्या कवितांनी लिकलिकता.

'भितोल्लें तुफान' केद्देंय गाजूं, हे लिखणेवेल्यान जोगलांचे शिवाय गडगड फुटचेनात. तश्या जोगलांचीं आज 'अक्षतां' जाल्यांत. काल 'नक्षत्रां' जावन आमचें

मनमळब परजळायल्लें तें हाणींच. पयर आमी काळजार कोरांतून घेतल्लीं परजळीत 'अक्षरां', तीय बी हींच.

जोगलांनी तेज आसता ते भशेन श्री. भास्कर हांच्या उतरांनीय आसता. पूण गडगडाचो गोंदळ ना. शांत. आनी तींच शांत उतरां एकदां वाचप्याक अशांत करपी जातात. कित्या तर ही शांतताय भिजूडपणाची न्हय. ही आसा निर्भीकपणाची.

शांत उतरां क्रांती घडोवंक शकतात. ती क्रांती आसा मनाची, विचारांची, अंत:परिवर्तनाची. श्री. भास्कर हांचीं उतरां असलीं. वाचप्याक काळखांतल्यान उजवाडाकडेन व्हरचीं. अक्षतांचें हें सत. अक्षतांची हीच शक्त.

रोखडींच क्रांती घडिल्ली पळोवंक जाय अशी कवीक ताकतीक ना. पूण एक ना एक दिसा एक समूल परिवर्तन घडटलें हातूंत तांकां दुबावूय ना.

'भायर सरलेलीं उतरां' एकदां परतून येतात - 'उदयावेळार न्हिदूंक सोदतल्यांकडे' साकून - जांच्या 'कानांत शिशें भल्लां..'

तरीय कवीलें बरवोप थामचेंना. कित्या तर बरोवप हो तांचो जन्मसभाव - 'म्हज्यान जाता हांव करतां..' आनी मागीर कवीक बरे भशेन खबर आसा -

"दीग दीग वाट म्हजी
चलून केन्ना सोंपची न्हय.."

संग्रहांत दोग म्हान मनशांचो परामर्श आयला. पयसुल्या नायजिरिया राज्याचो 'सारो वीवा' आनी केरळांतलो 'नाराणत्त'. आपल्या भाव भयण्यांचें बरें येवजिल्या 'गुन्यांवा' खातीर ख्यास्त भोगिल्ले, त्रास सोंशिल्ले अशे हे मनीश. वाचप्याच्या आत्म्याचे पण्टेंत आपलें आत्मतेज इल्लें ओतुनूच ते वतात.

"अहो बळवंत उतरांनो
तुमी येयात म्हज्या वांगडा.."

कवीचो सोद बळवंत उतरांचो. बळवंत मनशांचो न्हय कित्या? बळवंत मनीश कितें करतात हें तांणी बरेंच पळयलां. हिंसेंत बुडून ते 'दुष्टबळ हाताळटात' - आवय भुंयेक लेगीत घुसमट दिवपा सारकीं. हें सगलें आज ना फाल्या थामतलें - थामूकच जाय, अशें कवीचें मत आनी अभिलाषा. फकत बळवंत उतरांकच ते सारकी शक्त आसा अशें तांणी समजून काडलां. म्हणुनूच कवि तांकां आपयता. येवकारता.

"मा निषादा!"

हिंसा पळयत अवचीत जागेर आयिल्या एकल्यान उतरांचें रामायण केलें, हाचो उगडास आसचो.

समूल परिवर्तनाचें उजळ सपन हांच्या वेगळ्या कवितांनीय दिसता. 'युगपरिवर्तनाच्या यात्र्याक' उलो मारीत ते म्हण्टात -

"अखेर तूं
आगळ्या वेगळ्या जाग्यार पांवतलो
थांगा नाळयेचो घुडघुडो पांवचोना
थांगा रक्ताचो व्हाळ व्हांवचोना
सपन तुजें
रुप्या वाटले भशेन मळबार सोबतलें.."

हे लिखणेचे फाटल्यान एक अशें कविमन पळोवंक मेळटा, जें आसा सत्य नियाळपी, सपनां चितारपी आनी उतरांचें उर्ज वळखुपी. रसिकूय तें पळोवंक शकतलो हातूंत म्हाका मात लेगीत दुबाव ना.

अख्ख्या संवसाराचें बरें आंवडेवन, काव्याक्षरांची 'अक्षतां' शिवरपी कवि, श्री. भास्कर हांकां उकत्या मनान परबीं दितां.

उजळ विचारांचो उजवाड पसरायत ही लिखणी सदैव चलत रावूं..

श्री. आर. एस. भास्कर हांकां 2020 वर्सा **केंद्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कार** आनी तशेंच 2023 वर्सा **विश्व कोंकणी कविता पुरस्कार** प्राप्त जालो.

आखाड्यावयलो येवकार

(प्रोफ. के. आर. वसंत मणी हांगेल्या ‘निमज्जन’ शीर्षक कथासंग्रहाक 1999 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना.)



प्रोफ. वसंत मणी हांचे लिखणेवेल्यान ज्यो कथा उपजल्यात त्यो सगल्योय आपलेंच अशें खाशेलें व्यक्तिमत्व घेवन रावपी अश्यो. ह्या कथांची फाटभूंय आमची भोंवतण, आमचें घर शेजार. वाचप्यां मुखार नवोच असो कसोय बी एक काल्पनिक संवसार उबो करूक ह्यो सोदीनात. पयसुल्या गांव वाठारांतल्या अनवळखी मनशांची वळख दिवंकूय सोदीनात. दर कथाय आपलीच कशी, आपल्यांचीच कशी सांगपी असो हो कथाकार. आनी आपलेपणाची ही भावकीच ह्या कथांचें खाशेलेंपण जावन आसा.

कथेकडे म्हजें नातें चड करून आस्वादकाचें. देखुनूच एका बरोवप्याचे वा समीक्षकाचे चिकित्सक नदरेन कथांकडे हांव पळयना. पूण साहित्याच्या समस्त शाखेंकूय अवश्य जाय तसो जो गूण आसा (जाचो कांय समीक्षकांक लेगित विसर पडटा) तो गूण आस्वादक ह्या नात्यान हांव सदांच सोदी. आमचें हातबरप जशें ‘वाचनीय' आसूंक जाय म्हण्टात ते भशेन साहित्यूय ‘वाचनीय' आसूंक जाय. अथवा, 'रीडबल' आसूंक जाय. ह्या कथांनी तर हो गूण उठून दिसता.

हाचें कारण कितें? एक म्हळ्यार, आयकीव गजालेचे वा आयचे घडणुकेचे वर्णने भशेन केल्लें सरस निवेदन. ताचे भायर, एका परस चड कथांनी तोंड दाखोवन, पुराय कथासंवसार आमचो वळखीचो करून दवरपी असलीं कांय कथापात्रां. आनी कितें? श्री. पी. जी. कामत हांच्या उतरांनी सांगल्यार 'गंभीर परिस्थितींतूय उतरांक गोड्डी लावंची संवय.' अशे ही त्रिमुखी प्रतिभा हांच्या पयल्या संग्रहांतूय स्पष्ट दिसताली म्हण्टना, हो तर हांचो 'आंगांतलो गूण' जावन आसा म्हूण थारता.

अणकाराच्या क्षेत्रांतली एक अस्तुरी म्हण्टा - 'चडावत कोंकणी कथा आमकां कोंकणी वाचप्यांक भोव बऱ्यो दिसल्यो तरीय, त्यो अणकारल्यो म्हण्टना तांच्यांनी व्हड कितेंय आसपाचें दिसना.' हाचे उरफाटीं एका जाण्ट्या साहित्यिकालें मत अशें - 'एकाद्या बऱ्या साहित्याचो होच तर विशेष सभाव आनी सभाव विशेष. अणकारांत नष्ट जाता म्हण्टात ती फकत कविताच न्हय.'

हे भशेन, कांय वांट्यान काव्यांश आशिल्यो अश्यो ह्यो कथा म्हळ्यार अतिताय जावंची ना. कविता म्हणल्यार फकत मोग आनी फुलां न्हय. जंय जीवित आसा, थंय कविता आसची ना? ह्या कथांनी तर आयचेंच न्हय, कालचेंय लेगित जीवित जिवेंच आसा. जीवितूच न्हय तर जीविताची चर्चाय आसा - कांय वेळार भुलोवपी जाल्यार कांय वेळार भूल काडपीय बी.

धोल्लकार विटूमामालें जीवित सर्वसाधारण आसत; पिंपळा सारकेल्या निनांवी यात्रिकाल्या पुराय जीवितांत असाधारण अशें कितेंच घडलें नासत; पूण जेन्ना ह्या कथांनी आमकां तांची खरी वळख मेळटा - खोलायेन वळख मेळटा तेन्ना धरून तांकां विसरप आमच्यान अशक्य जाता. ‘बी.बी.सी.' शीर्षक कथेंत तोंड दाखोवपी 'बडका केरी दुरपदक्का', आनी 'निमज्जन' शीर्षक कथेंत परामर्शिल्लो 'मोडें मोर्तो', हीं दोगांय आदल्या संग्रहांतल्यानच आमचे वळखीचीं जावन आसात. आनी मागीर 'खबरे माम' - हो फकत एक कथापात्र म्हूण कोण सांगतलो? खबरे खातीर खबर सांगपी, खंयचेय घराक खंयचेय वेळार वचपी, जंय चार जाण मेळ्ळ्यात थंय पांचवो जावन पांवपी - हाका निज जीवितांत एकदा दुसऱ्या एका नांवान आमी वळखतात आसत. तरीय, हे फुडे आमी ताका ‘खबरे माम' म्हणूच बी चुकून उलो मारलो जाल्यार अजाप ना.

दुःख आनी विनोद हीं परस्पर पूरक म्हणपाक कितल्योशोच देखी दिवंयेतात. ‘बरेच विनोदी खुद्द दुःखी आसतात, आनी दुःखी मनीसूच बरो विनोदी जावपाक शकता’ ही म्हण तर जशी संवसार नामनेची, तशी संवसार मान्यतायेचीय आसा. हो कथाकार कांय वाट्यान ह्या पंगडांतलो अशी दिसून येता. 'रोंटसां', 'व्हरताक देखूयेना', 'बी.बी.सी.' - आदी कथांतलो मेकळो विनोद; ताचे बरोबर 'आराट', 'धा रुपया' - आदी कथांतलें व्यंग्य तशीच टिका. मागीर 'धोल्लकार विटूमाम', 'एकलो यात्रीक', 'मागणे' - ह्या कथांनी तर दुःखाचें प्रत्यक्ष रूपच बसयलां. कथाकर एकदा खुद्द दुःखी नासत, पूण आपल्या सरभोंवतणच्या खूब जाणालें दुःख लागीच्यान वळखुपी आनी आपल्या

काळजांभितर अणभवपी अशें आमकां कळून येता. ज्या मनशाक दुसऱ्यांच्या दुःखाची वळख आसा ताका तांच्या सगल्याय भावांची वळख आसा.

प्रोफ. वसंत मणी हांच्या कथांक खरें म्हळ्यार, एके प्रस्तावनेची वा येवकाराची गरज ना. तांच्यो कथा खुद्द सादरीकरण करचेल्यो. वाचप्यांक आपोवन बसोवंचेल्यो. आपसुकींच तांचे लक्ष ओडून घेवंचेल्यो. तेभायर? तांच्या मनाच्या जमनीर एकाद्रें बीं घालूंक सोदचेल्यो. तें कसलें बीं? तें आसा बरें वायट समजुपी एका गिन्यानाचें बीं. साहित्यांत अश्या कश्याय बी उद्देशाची गरज आसा? सिद्धांता प्रमाण नासत, पूण वास्तवांत ना काय?

पाव वराचो वेळभर वाचप्याक हासोवप, रडवप, वा गुल्ल करप, म्हजे कथेचो फकत इतलोच उद्देश - अशी खंयचो कथाकार धादोशी बसपाचो? ह्या कथांचो उद्देश तर खंडितूच इतल्यार पावन आटून सरना. कथाकारालें जीवितदर्शन बऱ्याच वांट्यान तांचेर प्रभाव घालता. हाची देख 'निमज्जन' शीर्षक कथाच. सपनांत घडिल्ले भशेन ही सांगल्या तरीय, ज्या गजालेंची हातूंत वर्णना जाल्या, तांची तर चाबकुरी टिकाच केल्या. भुरग्यांक कोडूवीख तशें ओखद दितना, वांगडा मात्शी साखर दिवंचे भशेन आसा हें सपनेवप. वायट वर्तणूक पळोवन, चुकांची पुनरावृत्ती पळोवन, ओगी बसप ह्या कथाकाराक शक्य नासता.

आलपळे गांवांत आयच्यान खूब बरी समाजसेवा हांणी केल्या आनी आतांय करीत आसात हाची जाण भायल्यांक कोणाक एकदा नासत. अध्यापन, समाजसेवा, आनी साहित्य - ह्या तिनूय कार्यक्षेत्रांनी एकाच वरी प्रतिभा दाखयिल्या, एकाच वरी नामना जोडिल्या, प्रोफ. वसंत मणी हांकां परबीं दिवंक संद मेळ्ळी - हें म्हजें भाग्य अशी मानतां.

ह्या आखाड्याकडे राबून तुमकां येवकार दितां.

काव्यसंवसार

(श्री. एम. जी. राजीव हांगेल्या 'संवसार' शीर्षक कवितासंग्रहाक 2000 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना.)



पांतीसांच्या तरणेपणार एम. जी. राजीवालो हो आतां तिसरो काव्यसंग्रह. पयलो संग्रह गेल्या वर्साच उजवाडाक आयलोलो - 'हर्द्यांतूलीं सवणीं'. कोचीचे कोंकणी भाषा प्रचार सभेच्या पुरस्काराचो भोवमान त्या काव्यांक मेळ्ळोलो. कविश्रेष्ट मनोहर राय सरदेसायांच्या वेंचीक अक्षराक्षतांचो आशिर्वादूय त्या संग्रहाक मेळ्ळोलो. विषय वैविध्याची आनी वीक्षण वैविध्याची मुखमुद्रा घेवन आयलेल्या त्या संग्रहा उपरांत ह्या वर्साचे सुरवेक प्रकाशन जालो 'पिरलूकय घेवन' हो संग्रह. कांय संतऋषींगेले, कवींगेले जिणेंतल्यो म्हत्वाच्यो धडणुको वाचप्यां मुकार उबी करच्यो एकवीस कविता वेंचून एकठांय केल्लोलो तो संग्रह वाचतना गांव गांवानी भोवलेल्याचो अणभव जाता. कालचक्राचेर चडून फाटल्यान चल्ल्या वरी दिसता. ज्या कांय इतिहासिक पात्रांक आमी केवल नांवान वळखताले, तांची वळख भोव लागीचान मेळिल्ली प्रतीति. ताचे वरवीं, भारतखंडाचे व्हडविकेची जाण बी मेळता. अंतरंग निवळ जाता, शांत जाता.

तसल्या दोन संग्रहां उपरांत आतां ह्या तिसऱ्या संग्रहांत कितें आसा? ह्या काव्य संवसारांत पावल दवरतना पयलींच कळता कितें म्हळ्यार हो संग्रह पयल्या दोनां परस स्पष्ट रूपाल वेगळो आसा.

हातूंत एक तांतूं भोवच अपुरबायेच्या उतरांनी चित्रायलेले जीवितांतुले ल्हान सान संभव दिसतात. 'इस्तिरिवाला', 'किस', 'नाटक', 'जाथा', 'भोवर आनी मोगरी', अशी कवतुकाचे आनी खुशालेचे संभव. आमचें जीवित असल्या जायत्या संभवांनी भरून

आसा, हें आमकां हीं काव्यां वाचतना उडगास जाता. आमच्याच जीविताची आमकां अशी वळख, याद आनी भेट दिवपी हो संग्रह म्हव्यार जाता.

अशीच आस्वाद्य जावन आसाय, 'व्यत्यस्त' 'दांतुंबर', 'चानी', 'बेवकुली', 'पाणिनी सूक्त', आदी उजळ चित्रां.

जो एकलो आपले दोळे सदांच वाकते धरता तो तरी बरो कवी जांवचो ना. खऱ्या कवीक एकेकदां आपले दोनीय दोळे धांपून धरपाचे जाय पडटा. तेन्नाच ताका संवसारांतले चमत्कार दिसपाचे, जे वाकत्या दोळ्यां मुखार कदापि प्रत्यक्ष जायनात. कवि राजीव हें जाणांच. ताणें 'एक कवि' हे कवितेन एक म्हान कवीचें म्हान उदाहरण सादर केल्यांय आसा.

हे वरीच उज्वल व्यक्तिचित्रां जावन आसाय 'पाणिनी', 'पाक्कनार', आनी 'सकूबाय'. एक वेगळेच कालाचीं, वेगळेच युगाचीं हीं चित्रां. पूण मनीश हे वळखीचेच. अतीताचीं चिह्नां, चित्रां आनी चिंतनां हातूंतल्या कांय इतर कवितांनीय आयल्यांत, जीं ह्या कव्यांचे बलिष्ट आनी धनिष्ट बुनयादेची गवाय दितात.

परणें पुरातन म्हूण वळखून आयलेलें आतांय चिरनवीन कशें उरलां. जाल्यार एकेक कालाक नवनूतन, अधुनाधुन म्हूण गाजयिल्लें मातये भरवण जालां. साहित्याचोय इतिहास हाचीच गावाय दिता. शतकां वयर वर्सां पयलींचे काव्य तिगून वरल्यां, जितें वरल्यां (गोड्डु रामायण, श्रवोण, आदी). जाल्यार केवल धा बारा वर्सां पयलींचे साहित्य पुसून कशें गेलां.

हाचें कारण कितें म्हूण विचारल्यार एक न्हय, इखरा कारणां सांगूयेतात. पूण एक प्रधान कारण जावन आसा आत्मार्थतेचो आनी प्रतिभेचोय उणाव. हाका विशेष रूपान उदाहरण कसलेंच नाका. कितलींच उदाहरणां आपसुकींच वाचप्याल्या मनांत उदेतलीं.

आत्मार्थतेचो आनी प्रतिभेचो आनंददायक सुमेळ पळोवंका जाल्यार सान ल्हान, तीन रुपयांचें, एक पोरणें पुस्तक उगडल्यार पुरो - सर्गेस्त आर. सी. शर्मा हांची 'भाषागानमंजरी'! तांतुल्या सस्त्या, हळडुव्या, न्यूसप्रिंट पानांचेर मलयाळम लिपीन छाप्पिल्ले प्रति एक सुंदर गीत म्हत्वाचें आनी मोलादीक आसा. तसल्या त्या अनश्वर गीतांनीच केवल नश्वर एका गीतकारालें नांव आतांय जितें दवरलां.

पूण सद्या जें चलता तें हाचे उरफाटें न्हय कीं म्हण संशय उदेता. नव्या साहित्याचो बरोच वांटो उबो रावला केवल त्या त्या बरोवप्यांच्या नांवांच्या आधारान न्हय कीं?

हातूंत अर्द तरी तथ्य आसा जाल्यार, खंडितूच साहित्याची ही एक दुरवस्था. पूण रडून बसपांत अर्थ ना. काल बदल्लो म्हण लांब सुस्कार सोडून ओल्तेराक शरण पावपांत अर्थ ना -

"कालो न यातो, वयमेव याताः" अशी संस्कृतांत एक सत्यवचन आसा. मनुष्यावस्थेचें हें एक खरेपण. 'संवसार बदल्लो', 'काल बदल्लो', 'युग बदल्लें' अशी परत परत सांगपांत कितलें सत्य आसा? बदल्ल्यात ते आमी! बदल आयला तो आमकां. परिवर्तन घडल्यां तें आमच्यांत..

अश्या कांय परिवर्तनांचीं चित्रां ह्या संग्रहाक विशेष परिवेष दितात -

हस्तीचे फाटीर देव, आनी तिचे पायांक सांखळ..

जित्याक जाय तशी पळयनातिल्यांनी घडयल्ली विलापयात्रा..

असल्या चित्रां भशेन 'प्रत्याशा', 'बुळडोसर', 'कासोव' असल्यो कविताय आयच्या समाजाची टिका करतात.

'गांव', 'कपलाबोरो', 'इनक्किलाब', असल्या कवितांनी तर ही टिका विनोदात्मक जाता.

'अस्तमन' कवितेंतली टिका एका सुस्काराचें रूप धरता.

'आशा' हे कवितेंतय टिकेचो एक धागो आसाच. पूण ही एक कविता पुराय अर्थान वेगळेपण सांबाळपी जावन आसा. पुराणांतली कथा घेवन कवीन हातूंत आयच्या समाजांतल्या पात्रांक स्पष्ट रूपां दिल्यांत. ते भायर आत्मार्थ रूपान आपण्याली जीविताची इच्छाय प्रकट केल्या. ह्या कवीक तेमका तेंगशेचो सोद ना. क्षितिजा पेल्यान वचपाचो हावेसूय ना. आपली जीण वरिष्ट आसची, फकत इतलीच ताची प्रार्थना.

हे असले प्रार्थने मुखार 'तथास्तु' म्हणून घेवंचो ना तसलो देवूच आसचो ना!

संग्रहांतली आनीक एक व्यत्यस्त कविता आसा, 'आमची ही आवय भास'. कवीन अचूक आनी सुंदर उतरांनी कोंकणीची विशिष्टताय हातूंत दाखयल्या, आनी तिचेवेलो मोग प्रगट केला.

अशी तरातराच्या काव्यांनी अलंकृत, सुसज्जित अशा ह्या काव्यसंवसारांत रसिकांक येवकार दितना अंतरंगांत असीम आनंद दिसता. कित्या म्हळ्यार आनंद वांट्टना तो दोट्टीन खंय वाड्डता!

उपपद

(श्री. वी. कृष्ण वाध्यार हांगेल्या 'दुर्पती' शीर्षक कादंबरीक 2002 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना.)



श्री. वी. कृष्ण वाध्यार हे कोंकणी साहित्य लोकांत व्हड वळखीचे न्हय आसत, पूण मलयाळम सहित्य लोकांत ते ख्यातीक पाविल्ले कादंबरीकार. दोन दसकां वयर जाल्ले हांचे साहित्य उपासनेक लागून सात कादंबरी आनी खूब कथा मलयाळम साहित्याक मेळ्ळ्यो. ते सगले सृष्टेंक जुळोवन घेवंचें एक भांगरा सूत म्हळ्यार तातूंत प्रतिपादित जाल्लें कोंकणी जीवित. कोंकणी समाजाची फाटभुंयीच ह्या कथाकारान अतीव आपलेपणान सदांच वेंचून काडिल्ली. हया समाजाचो गतकालीन इतिहास धरून आयची परिस्थिती मेरेन हांच्या कथाविश्वांत आयल्या. केरळच्या साक्षर समाजान आजून जायत्या साहित्य पुरस्कारांनी हांचो भोवमान केला.

फाटल्या दसकांत जेन्ना हांणी कोंकणींतले साहित्य सेवेक शुरवात घाली तेन्नाय हांचे लिखणेची तांक स्पष्ट जावन कळ्ळे विना राबली ना. हांचे 'पिरियागी' हे कथेक 1997 वर्सा कोंकणी भाषा प्रचार सभेचो साहित्य पुरस्कार मेळ्ळो. कोंकणींत अशी सुमार कथा बरोवन जाल्ले उपरांतेंच हांणी ही कादंबरी रचिल्ली. कोषिकोड 'सारस्वत वाणी' म्हयनाळ्याचेर एक वर्सा वयर जावन ही नेमान उजवाडाक आयली. उपरांत आतां आमच्या हातांत पुस्तक रूपान पावल्या. पुस्तकाच्या रूपान आयले विना आज कसल्याय कोंकणी साहित्याची मोलावणी जायना हें एक कोडू सत्य जावन आसा. म्हणून हे मुकार कोंकणी वाचकांक आनी समीक्षकांक हांगेले कृतीं विशीं परामर्श, चर्चा करचीच पडटली.

हांगेले कथन शैलीचें आनी भाषा शैलीचें सगल्यां परस व्हडलें आकर्षण म्हळ्यार हातूंत थळथळपी निसर्गिक सरळताय. आपल्या सुमार सगल्याय कथा-कादंबऱ्यांनी

स्वयं आपुणूच निवेदकाचे रूपान आसून लेगित, आपल्या पात्रांचेच वरी सोंपीं चालंत उतरां आनी प्रयोग वापरपाक हांकां कसलीच अडचण दिसना. आपल्या पात्रांलागी ते तितले पुरोश एकनिष्ट आसात. आनी हांचीं पात्रां जाल्यार सदांच आपुणूच जावन तीं उलयतात, चिंततात. पात्रांच्या विचार भावांनी वा उतरां प्रयोगांनी लेखकालो हात वा नदर खंयच तोंड दाखयना. घडणुकांचेर वा परिणामांचेर लेखकालें कसलेंय पूर्वनियंत्रण आसा म्हणूय वाचकांक अणभवना. ते वरी स्वाभाविक रूपानच कथावस्तू आकार धरता.

कोंकणी समाजाच्या सुख दुःखांच्यो, धर्मसंकटांच्यो आनी अंतःसंघर्षांच्यो कथा हे सांगतात. ह्या समाजाच्यो आशा-निराशा, आचारां-विचारां, अशी संपूर्ण जीण आनी इतिहास म्हणल्यारीच हांगेलो कथा संवसार. समाजाक स्वयं नियाळून घेवपा खातीर उबी केल्लो हो एक भव्य हारसो. आनी हो हारसो आसा भोवच सोपो सादो. आधुनिकोत्तर साहित्याचे जड जड अलंकार वा माध्यमा वयलें कसलेंच कसरत हांगा ना. कथा सांगपाच्यो शंबर एक तरा हांगा खंयच वापरूंक नात. देखुनूच हो हारसो बिलकुल नितळ आसा आनी तशेंच हातूंत पडबिंबित जाल्लीं समाजाचीं चित्रां बिलकुल खरीं आसात. कालच्या आयच्या समजाचो एक प्रातिनिधिक परिच्छेद दाखोवन जावन, फाल्या खातीर एक बरो नमूनो लेगित कथाकारान हातूंत दवरला.

हे कथेविशीं वा हातूंतल्या पात्रां विशीं कसलोय पूर्व परामर्श हांगा उचित आसचो ना. पूण इतलेंच तरी सांगचें पडटा कीं ही कथा केवल एक दुर्पतेली मात्र कथा न्हय. हातूंत आयिल्ल्या वीसां वयर पात्रांकडेय कथाकारान फाव तो न्याय केला. ज्या ज्या घरवंताकडे दुर्पतेन जीण काडली त्या घरवंतांचीं भावचित्रांय तन्मयत्वान रेखाटल्यांत. मनशांले वेवेगळे भाव आनी सभाव हांच्या कुशल आनी मार्मिक लघु चित्रणांनीय ही कृती समृद्ध आसा. हातूंतलीं पात्रां फकत पात्रां न्हय आसून रगता मांसाचीं मनशांच आसात.

खूब म्हूण मलयाळम कृतींचे उपरांत तरीय, आज कोंकणीक हो मोलादीक उपहार दिल्ले खातीर श्री. वाघ्यार हांकां आमचीं हार्दिक परबीं फाव. ह्या ज्येष्ट साहित्यिकाच्या हातांनी आनीकय खूब श्रेष्ट साहित्य कोंकणीक मेळो अशी मनःपूर्वक प्रार्थना अनी आशंसा.

श्री. कृष्ण वाघ्यार हांगेले ‘बालू’ शीर्षक बालकादंबरेक 2020 वर्सा केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो **बालसाहित्य पुरस्कार** प्राप्त जालो.

कथापूर्व

(श्रीमती सूर्या अशोक हांगेल्या 'पुनर्जनी' शीर्षक कथासंग्रहाक 2005 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना.)



अत्यंत प्रियकर एक कितें सदा खातीर हात सोडून गेलें म्हूण समजून हताश जावंच्या वेळार, आठयनासतना तें परतून मेळप, हें आनन्दातिरेकाक कारण जाता. ह्या पुस्तकांतल्या एक दोन काण्यांनी असले संदर्भ येतात. जाल्यार जीवितांत आनी कथाविश्वांतूच न्हय तर, साहित्याच्या क्षेत्रांतूय असले संदर्भ एकेकदां येतात अशी आमचो अनुभव आसा. केरळाच्या कोंकणी साहित्यक्षेत्रांत एक नवोदय जाल्लो तो 1924 ह्या वर्साक लागून. थंयचान मागीर दोन, साडे दोन दशकांत भाषेची आनी साहित्याची बरी पोसवण जाली. पूण मागीरच्या काळांत तो उत्साह ना जालो. तशी धा धा वर्षां धावन गेलीं म्हण्टना चडय जाणांनी आशा अभिलाषा पुराय सोडली. जाल्यार सत्तरेच्या दशकांत कोचीच्या 'कोंकण जनता' म्हयनाळ्याक लागून पुनः तो उत्साह जागो जालो. वेगवेगळ्या संस्थ्यां वाटेन पुस्तकां उजवाडा येत राबलीं. परिचर्चा, मेळावे, कविगोष्टी, सम्मेळनां, आदी घडत राबलीं. हांगाच्या साहित्यिकांची वळख केरळा भायर लेगीत पावपाक लागली. हांगाच्यो कृती देशीय तलावेले पुरस्कार भोवमान जोडूक पावल्यो. अशी आतां तीस वर्षां जालीं हो उत्साह ह्या त्या पावसा वाझवडेंत तिमून भिजना तशी राबला. 'कोंकण जनता' अस्तमली. एकेक संस्था हळू हळू कुर्वूंक लागली. तरीय घराघरांनी लायलेल्या दीव्यां वरी, व्यक्तिगत रूपान हो साहित्यिक उत्साह आतांय जागृत आसा, वाडत आसा. श्रीमती सूर्या अशोक हांच्यो कृती हाचें प्रकाशमय उदाहरण. गेल्या वर्षा कोषिकोड शारांत घडयलेल्या अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचे वेदीचेर हांगेलें 'कृष्णगीत'

काव्य उजवाडाक आयलें. त्या पुस्तकांतलीं आकर्षक चित्रांय लेखिकेनच रचिल्लीं. गेयकवितेचें आनी चित्रकलेचें संयोजन तातूंत जालें. भक्ति आनी कथनचातुरीचेंय संयोजन जालें. खूब म्हूण साना व्हडांक तें पुस्तक अत्यंत गोड दिसलें. आनी आतां नवो दीस उदेला! श्रीमती सूर्या अशोक एक नवी आनी अत्यंत व्यत्यस्त कृती घेवन आयल्या. तांणी सप्तरंगाच्यो तश्यो सात रुचीक काण्यो आमच्या मुकार दवरल्यात.

काण्यां विशीं उण्यांच उतरांनी सांगतां. अतीव विभिन्न स्वभावाच्या तेग चोवगांक चित्रांवचे 'चोरु बुद्धि शिकता' हे काण्येंत सरस रूपान संभववर्णन जाता जाल्यार, 'तिरुपती देवालो निवेद' ही काणी एक भावपूर्ण तलाचेर भोंवता. भरपूर संभाषणांनी भरिल्ली 'शेजारची पै मांय' ही काणी एक मनीस स्वभावाक समूर्त रूप दिवंचाक सोदता जाल्यार, 'सन्यासी' हे काण्येंत एक सान चलेले स्वप्नांतल्यान एक भयजनक सत्याचें वर्णन जाल्यां. 'प्रायश्चित' ही काणी घटनाप्रधान आसुनूय हातूंत पात्रचित्रणय बरेच प्रमाणान जाल्यां - दोग मित्रांचें आनी तांच्या घरकारांचें. 'देवदूत' ही काणी पुरस्कार मेव्ळेली, आनी मागीर संपूर्ण नाटकाच्या रूपान आविष्कार जालेली. सात पात्रांच्या चित्रणाच्या वैशिष्ट्यान, मनोभावांच्या वेगळेपणान, आनी संभवांचे नाटकीय घटनेंतल्यान ही काणी श्रद्धेय आसा. 'पुनर्जनी' हे काण्येचो विषय तरी हांवें आरंभारीच सांगला. असफलतेचीं आनी निराशतेचीं खूब खूब वर्षां दांटवून साफल्य आनी संतोष जोडिल्ल्या एक गांवगिऱ्या मोगाची ही काणी. कथन आनी वर्णन बरेंच आकर्षक जाल्यां. इतलेंच कीं, वाचकाक एक टेलिफिलिम पळयल्याचो अणभव जाता!

लेखिकेलें आयचें हें दुसरें पुस्तक उजवाडा येंवच्या निमितान आतां चर्चेक योग्य तसलो एक विषय मुकार सरता - 'केरळाच्या कोंकणी साहित्य क्षेत्रांतुली स्त्री प्रतीभा.' रोखडींच उणींच उज्वल नावांय आमचे यादीर उदेताय - इकूणिसावे शतकांत सुदीर्घ भक्तिगीत बरोवन गायन केलेली कोचीची 'अमुलक्का शेणै'; सुमार 40 वर्सां पयलीं 'रघुरामायण' महाकाव्य रचिल्ली अम्बलपळेची 'कमलम्माळ'; 'गुरुभक्ति' रचिल्ली कोचीची 'द्रौपदी बाय'; 'श्रीकृष्ण लीलामृत गानमाला' रचिल्ली 'जंबक्का शेणै'; 'गानमालिका' रचिल्ली पोरवूरची 'सुमित्रा बाय'; तीन नवीन काव्य संग्रह रचिल्ली कोषिकोडची 'वत्सला मंजुनाथ राव', तशी तशी. छापिल्लीं पुस्तकां सोडून, गेल्या तीन दशकांतले कोंकणी नेमाव्ळ्यांचे अंक पळयल्यारीय खूब लेखिकांल्यो तरातराच्या नमून्याच्यो कृती वाचूक मेळटात. हांगा थांगाच्या साहित्य मत्सरांत विजयी म्हूण जायत्या लेखिकांचीं नांवांय आयकूयेतात.

हातूंत आश्चर्य ना. आज जें लिखित रूपान हीं करतात तें काल पयर हांच्या म्हालगड्यांनी कथित रूपान करून आयलेलेंच. ही तांची रक्ताची आनी आत्म्याची संवय! एक कालार समूल रूपान हुमटून परके भुंयेर पावलेले एक जनपदांचो लोकवेद सगळ्याय आंगांनी जिवो जिवाळ जावन तिगपाक सर्वोच्च कारण आमच्यो अगण्य अनामिक आवस, आज्यो, पोणज्यो आनी शेणज्योच. तांचो तो निसर्गीक स्वभाव ह्या आतांच्या पिळगेच्यांनीय सोडलोना, हें जावन आसा कोंकणीचें एक व्हडलें सौभाग्य.

विशाल भूमिकेवेले असले उदात्त विचार मात्र न्हय, व्यक्तिगत रूपानय थोडें सांगचें जाल्यार, हे लेखिकेलो म्हांत तृपूणित्तरेचो श्री वी. अच्युत पै खूब काळांनी म्हजे वळखीचो मनीश. कोंकणीचो व्हड भक्त आनी मोगी. खूब वर्षां पयलीं 'कोंकण जनता' म्हयनाळ्याक जायत्या वर्गणीदारांक जोडून दिवपी मनीश. कोंकणीच्या समस्त कार्यावळींनी वांटो घेवपी. आपल्या मायभाशेवेल्या तांच्या मोगाचो प्रभाव सानपणांतूच आपण्याचेर पडला म्हूण लेखिकेन स्वता सांगलां. त्या आमच्या पै मामाले वाटेन जाल्ली वळख मागीर ह्या पोव्ळूर गांवांत सकुटुम्ब जावनूच घट जाली. हे लेखिकेल्यो जायत्यो कृती म्हाका वाचूंक मेळ्ळ्यो. तांणी बालगीताचो एक हातबर्पाचो संग्रह 'किरणां' केल्लोय आवडलो. तांणी चित्रायल्लीं खूब चित्रांय पळोवंक मेळ्ळीं. श्रीमती सूर्या अशोक हांकां वाचनाची बरी तान आसा. साहित्या भायर चित्रकलेकडेय व्हड लागणूक आसा. हें सगळेंच झळकुपी असली हांची प्रथम कृती आमी हे आदीं पळयल्याच. आतां पूर्णतया व्यत्यस्त रूपाची ही दुसरी कृती येता. मुकारीय कोंकणीक उत्कृष्ट साहित्य दिवंक हे लिखणेक तांक आसा. ते खातीर सगळ्यांचो प्रोत्साह मेळचो म्हूण विनंती करतां.

श्रीमती सूर्या अशोक हांकां केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो **बालसाहित्य पुरस्कार** (2014) मणिपालचो **डॉ.टी.एम.ए.पै अत्युत्तम कोंकणी पुस्तक पुरस्कार** (2012) गोवा कोंकणी अकादेमी साहित्य पुरस्कार (2014) ‘श्रीमती एन. एम. सरस्वती बाय स्मृती पुरस्कार’ (2014) आदी खूब पुरस्कार प्राप्त जाल्यात.

काण्यो सरतना उदेताय चिंतनां

(श्री. पी. गोपिनाथ कामत हांगेल्या 'काण्यो, घरा घराच्यो' शीर्षक कथासंग्रहाक 2008 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना.)



आमच्या कौमारांत वा तारुण्यांत आसची एकाद्री अभिरुची सगल्यांक तांगेल्या मुकारच्या जीवितांत केळोंवचाक जाली म्हूण जायना. थोड्यांक ती तर सदा खातीर नष्टय जाता. जाल्यार कांय जाणांल्या जीवितांत अशीय घडटा कीं खूब वर्षां उपरांत ती अभिरुची सुषुप्तेंत थाकून जागेर आयलेले चित्रशलभा भशेन पूर्वादीक सुंदर रूप धरता!

श्री. पी. गोपिनाथ कामत अश्यांतलो एकलो भाग्यवंत. सत्तरेच्या दशकांत केरळच्या कोंकणी साहित्याच्या रंगार हें नांव श्रद्धेय आशिल्लें. हांच्यो कथा, लेखनां आदी नेमाळ्यांनी आनी स्मरणिकांनी पळोवंक मेळटालीं. अखिल केरळ तलावेले कथा मत्सरांत (1979) हांका प्रथम पुरस्कार मेळ्ळोलो. लागी लागीं जावन उजवाडा आयलेल्या दोन कथासंग्रहांतूय हांगेल्यो कृती आशिल्ल्यो. पूण ताचे उपरांत तांची अभिरुची निद्रिस्त जाली अशी दिसता. उपरांत एक दोन न्हय, पांचेवीसा वयर वर्षां धावन गेलीं म्हण्टना ह्या साहित्यकाराचो आमकां विसर पडलोच म्हणूंयेता.

जाल्यार आज श्री. कामत हांची ती पोरणी अभिरुची जागी जावन, आपण्यालीं वर्णाभ पाकां विस्कळावन फटफटावन कोंकणी साहित्याच्या आंगणांत उबून खेळूंक आयल्या! हांगा थांगा जावन शिंपडून पडलेल्यो ह्यो काण्यो ह्या संग्रहांत एकत्र जाल्याय म्हण्टना ह्यो वाचकांले विशेष श्रद्धेक पात्र जाताय. एकमेळीचें हें अत्भुत कार्य केवल साहित्य कृतींचें मात्र न्हय. हें कार्य मनशां विशींय शतप्रतिशत सत्य आसा. हांगा थांगा जावन शिंपडल्ले कोंकणी जनांची एकमेळ जाता तेन्नाच ते इतरांचे श्रद्धेक पात्र जाताय. ना जाल्यार ना!

ह्या काण्यांचो सामान्य स्वभाव म्हळ्यार हांचें लाळित्य. माध्यमा वयर अधुनातन प्रयोगांचो परिश्रम कांय हातूंत ना. एकच पावट वाचल्यार पुरो, कथाकारालीं उतरां आनी आशय सीधा वाचका लागी पावलेच!

ल्हान सान काण्यो ह्यो, आमच्यो, तुमच्यो, आनी आमी वळखतल्यांच्यो. हीं कथापात्रां कोण तरी आमकां परकी न्हय. हांच्या चांगपणांत, वायटपणांत, मनस्तापांत सर्व प्रतिबिंबित जांवचेय हे आमीच. हांचीं सुखां, दुःखां, आशा, निराशा, विचार, प्रतिकरणां पुराय चड उणें आमचींच.

"असल्याक वे आज समुदायांत मोल?" म्हूण आखांत पांवता केवल एक कथापात्र न्हय, आमीच.

"दाम व्हड कीं समुदाय व्हड?" म्हूण प्रश्न करता केवल एकलो तरनाटो न्हय, तसले जिते जिवे जायते जाण आसात.

'श्यामळक्काक' आमी जायत्यांनी आमच्या नीज दोळ्यांनी पळयल्या. 'गोपाल आनी वास्तेव' आमचे शेजारचे चलेच! चिरपरिचित व्यक्तींचीं चित्रां समकालिक समाजाचे पृष्टभूमीचेर चित्रण केलेल्यो ह्यो धा काण्यो म्हूण संक्षिप्त रूपान सांगूंयेता.

समाजसेवेंत निस्वार्थ रूपान कार्यरत जावन आशिल्ले श्री. कामत हांणी आपण्याली लिखणीय तेच वरी समुचित रूपान उपयुक्त केल्या. जंय काण्यो सरताय, थंय चिंतनां उदेताय.

कोंकणी साहित्याचे कार्यक्षेत्रांत परतून पावलोल्या ह्या क्रियाशील लेखकाक सुस्वागत आनी आशंसा...

एक साहित्योपहार

(श्रीमती कृष्णा बाई हांगेल्या ‘कृष्णेन्दु’ शीर्षक साहित्यसंग्रहाक 2010 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना.)

श्रीमती कृष्णा बाई हांगेल्या ह्या साहित्योपहाराक प्रस्तावनेच्या रूपान दोन उतरां बरोवंचाक बसतना म्हाका एक प्रार्थनेचें वाक्य उडगासाचेर येता -

“आ नो भद्राः क्रतवो यन्तु विश्वतः”



सगळेय कडेचान उत्कृष्ट विचार आमचेकडे येवोय म्हळ्ळेली ही प्रार्थना ऋग्वेदांतली. वास्तव म्हळ्यार, श्रीमती कृष्णा बाई हांगेल्यो वेगवेगळ्यो कविता आनी काण्यो एकठावन केल्लो हो साहित्यपुष्पांचो सुंदर तुरो हे सांगिल्ले प्रार्थनेचें फल दिवंचो जावन आसा!

सरळ मधुर भाषेन सहज रूपान बरें-वायट सांगून दिवपी, सफल जीवितयात्रे खातीर समर्थ मार्गदर्शन करपी, असल्यो ह्यो कृती. खंयचेय प्रायेचे वाचकांक ह्यो प्रसन्न करतल्यो आनी पसंत जातल्यो.

'सारस्वत वाणी' मासिकेचेर हांतुल्यो चडय कृती प्रकाशित जाल्याय. कोषिकोड संयुक्त गौड सारस्वत सभेचो 'पी. एस. आर. शेणै स्मारक पुष्पांजली पुरस्कार' सहित खूब पुरस्कार हांकां मेळ्ळ्याय. अशी कोंकणी वाचकांक सुपरिचित आशिल्ले हांची चड वळख दिवपांत अर्थ ना. आतां ह्यो कृती पुस्तकरूपान येतना खंडित जावन चड चड कोंकणी वाचकांकडे ह्यो पावंतल्यो.

ह्या बऱ्या उद्यमाक आनी श्रीमती कृष्णा बाई हांकां मिगेल्यो हार्दिक आनी विनीत आशंसा.

अनन्य जिणेची अथ्रेकणी

(श्रीमती सूर्या अशोक हांणी इंग्लीशींतल्यान भाशांतर केल्ल्या 'अनन्य केनिया' ह्या प्रवासकथनाक 2010 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना. ह्या पुस्तकाक 2012 वर्साचो ‘डॉ. टी. एम. ए. पै अत्युत्तम कोंकणी पुस्तक पुरस्कार’ लाबला.)



हालींच्या काळांत म्हायती विज्ञानीय रंगाचेर बरी प्रगती जाल्या. ताका लागून आतां चडीत जावन आयकूंक येवंचें एक हें - ‘संवसार खूब आंखडला! पृथ्विगोळ एकाद्रो गांव कसो जाला!’ म्हणून म्हणून परणी जाल्ली म्हण ही. सगळेंय लागी लागीशें जाल्यां खंय! जाल्यार हातूंत तथ्य कितलें आसा तें सोदल्यारीच कळत. खंय आसा एक तो गांवगिरो मनीश आनी खंय आसा हो आतांचो मनीश? लागी लागीं न्हय, हो आतां एकामेका पासून पयसूच वचत आसा. भूगोळ चिड्डून संकुचित जावंक ना, संकुचित जायत गेलां तें मनशाचें हरदें अशेंच म्हणूंक जाय. एकामेकाची वळख घेवप आतां केवल नांवां पुरती वा फायद्या पुरती जावंक ना? आपापल्या घरा दफ्तरा भोंवतणूच पुराय संवसार म्हणपा वरी जावंक ना? वळखुंया, हें एक जाळें आमची जीण पोल पोकळ करपी. ह्या जाळ्यांत चड ना उणे प्रमाणान घुसपल्यात हे आमी सगळे!

अशे फाटभुंयेर पयसुल्ले आफ्रिकेची, ज्याका एका काळार काळखें भूखंड म्हण्टाले ताची, लागची वळख घेवंक आस्त पावन मुद्दाम थंय वचून राबितो करपी एक मनशाक पळयतना आमी खरेच अवाक जातात. जेन्ना सामान्य भोंवडेकार विश्वाचीं सप्त महाश्चर्यां पळोंवक सोदतात तेन्ना ताचे उरफाटीं एक कसो रानवाठार प्रत्यक्ष भेटूक वचपी हो मनीश (श्री. सुधाकर आर. पै) खुद्द एक आटवें महाश्चर्य कशी आमच्या मुखार उबो जाता. पूण ताच्या त्या धाडसाच्या कामान खरेंच भांगार पिकयलां. एक विस्मयकर वाठाराची समग्र जाण दिवपी, एक अनन्य संस्कृतीची निकट वळख दिवपी, अशें हें

पुस्तक आमच्या हाताक लागलां. एका उकत्या मनाची उमज, जिज्ञासा आनी संवेदना शक्ती, प्रत्यक्ष जीवन अणभवांची समृद्धी, आनी त्यो सुरबूस उतरांनी मांडपाची कळाशी, ह्या सर्वांचें अप्रूप संमेळन हांगा घडलां म्हणिल्ल्यान हें पुस्तक तितलेंच अमोलीक जावन आसा. सामान्य रूपाचें हें केवल भोंवडे खबर वा प्रवास वर्णन न्हयींच. एक असामान्य वाठारांत वचून राबितो करून पळयल्ल्याचें, थंयच्या प्रत्यक्ष जीवन अणभवांचें सविस्तर वृत्तांत हें. हातूंतल्या थेट बातम्यांनी, पर्जळीत उतरांचित्रांनी सर्व ह्या लेखकान, ह्या धाडसी भोंवडेकारान, आपल्या आत्म्याचो एक अंश खंयचे एक कवी भशेन बसयला. हातूंत कथा आसा, कविता आनी कला आसा. जीण आसा, जिणेची चर्चा आसा. हर्ष आसा, दुःख आनी उद्वेग आसा. धाडस आसा, माये मोग आसा, आनी अथ्रेकणी आसा. पूण इतलें सर्व आसुनूय ही कृती इंगलीश साहित्य म्हळ्ळ्या म्हासागरांत घडये विरगळुनूच वचपाची. देखून ही कोंकणींत उतरावन श्रीमती सूर्या अशोक हांणी आमकांच न्हय तर, हे कृतीकय महदुपकार केला. मूल कृतीची अप्रूपाय वळखून घेवन आनी तिचो आत्मो सांबाळून दवरून ही परिभाषा जाल्या.

बर्यांत बरी परिभाषा जन्मुपाक जाय त्या सगल्याय उपाधींची, वातावरणांची हांगा सुंदर एकमेळी जाल्या म्हणपाचें वळखुपाक आनी समजुपाक हे कृतीचें खंयचेंय एकमात्र पान वाचल्यार पुरो! मूलकृती भोव बरी आसूंक जाय तें खरें, पूण ताच्यानूच जायना, भाषांतरकाराक ती मनापासून आवडुंकूय जाय. तिचे वयर ताका अपुरबाय दिसूंक जाय, आपलेपणाची भावना येवंक जाय. खुद्द आपल्या वाचप्या-रसिकाच्या आत्म्या भायर ताणें मूल लेखकाचो आत्मोय थोडोसो आपणावंक जाय. हेंय पावना, ताका मूल लेखका इतली संवेदना शक्ती आनी उतरांची कळाशी आसूंक जाय. हें अशें सर्व खरेंच हांगा घडून आयल्यां, मेळून आयल्यां म्हणुनूच इतलें सुंदर, इतलें तेजिष्ठ हें भाषांतर आमच्या हाताक लागल्यां.

पुस्तकाची मांडावळ, 'दृश्यपथ' पळयतना हाका एकतीस अध्याय दिसतात. हातूंत आरंभावेले दोन अध्याय घरकारांक बरयल्ल्या पत्रांच्या रूपान जाल्यार निमणो अध्याय (आफ्रिकेक अलविदा) लेखकान आपल्या सहप्रवर्तकां मुखार केलेलें निरोपाचें भाषण. आनी कवतूक म्हळ्यार, एक सगळो अध्याय (मोंबासा शहर) पद्य रूपान आसा!

2002 वर्षा मुंबईंत राबून आशिल्लो लेखक नोकरेचें स्थलांतर मेळिल्ल्यान पयस आफ्रिकेचे 'केनिया' राज्यांत वचपाक भायर सरता. आपल्या कुटुंबाक सोडून वचपाक ताचें मन आकुळपिकुळ जाता आनी आपशींच दोळे ओल्ले जातात तरीय, मुखार

केल्लो पाय फाटीं ओडूंक जायना म्हणून तो वताच. पूण ते वाटेन ताणें स्वीकारलां तें निगूढ दिसपी आफ्रिकेचें साहसी आपोवणें. हे भशेन अर्दें मन हांगा आनी अर्दें मन थांगा करून कांय काळ वता. पयल्या बारा अध्यायांनी आसतात ह्या काळाचे अणभव, गांव वर्णन, भोंवडे खबर, घडितां, आदी. नवो गांव परिचित जाल्ले उपरांत मागीर तो एक पावट घालून, कुटुंब सहित (बायल आनी दोग धुवो) दुशेर येता. तशी चड संतोषाचे, चड भोंवडेचे, दीस धावंतात. पूण अवचीत ताच्या मोटारीचो अपघात जाता आनी चलेलो पाय मोडटा. बरे वैजिकीन आनी परिचरणान ती बरी जाता तरीय पूर्ण सौख्य जायना. देखून तांणी आफ्रिकेक अलविदा सांगतात. हे भितर दोन वर्सां दांटवतात. देखून त्या दोन वर्सांचे संचितानुभव ह्या पुस्तकांत येतात. सुटये दिसांनी गांव भोवन पळोवप, तरातराच्या मनशांची वळख घेवप आनी घरच्यां ओटू, मित्रां ओटू सुखदुःख वांटप हांच्यांनी भरून आसा हें अणभव पुस्तक.

नायरोबी, मोंबासा, नकुरु, मकिंडू, नायवाशा, मसाई मारा, अशी जायत्या स्थलांची लागची वळख आनी अनुपम वर्णना मात्र न्हय, तांचीं वातावरणांच लेखकान उतरांनी सजयल्यांत. किलिमंजारो आनी अंबोसेलीचो अध्याय परत परत वाचपा सारको आसा. नायवाशाच्या पाणघोड्यां विशीं समग्र विज्ञानावरवीं थंय एक तंबूंत काडिल्ले रातीची खबर उद्वेगभरित आसा. मसाई मारांत जाल्ली सिंह दळाची भेटूय उद्वेगपूर्ण.

पूण पुराय आफ्रिका रानवाठार न्हय. जायत्या वाठारांनी, सुमारांच्या जीवितांत, बरी प्रगती जाल्या. हाचीय निकट वळख आनी खबर लेखक आमकां दिता. अशी तशी करच्या यात्रां वेळार, खाण जेवणा विशीं विवरसितना, कार, घर वा स्कूलां सोदतना, शोपिंग करतना, सगट एक नवे आफ्रिकेचीं चित्रां आमकां दिता. ज्या ज्या कार्यांत तो गांव खूब मुखार पावला ताचेंय उजळ चित्र त्या त्या कडेन उबें केलां. भारतीय जीविता कडेच्यो सुमार समानतायो परामर्शुंकूय लेखकाक विसर पडलोना, जशें भाजये वरीची 'सुकुमा' आनी मुंबई 'धारावी' सारकी नायरोबीचे शिमेवयली झोपडपट्टी. जें कांय थेट व्यत्यस्त आसा ताचो विवरणात्मक उल्लेख तरी आयलाच. मोंबासांत पळयल्ली 'निश्शब्द मोलावणी' तश्यांतली एकी मात्र.

दोळ्यां सामकार आशिल्याची खबर मात्र न्हय, सुमार संबंदित विषयांचोय परामर्श थांगा थांगा थळथळता. इतिहासपुरुष 'वास्को ड गामान' जशी भारतांत, केरळांतल्या 'काप्पाड' वेळेर पांवचे आदीं आफ्रिकेचे मोंबासांत थोडे म्हयन्यांक राबितो केल्ल्याचो परामर्श. नायवाशांतल्या पापिरस झाडांक धरून ताचो इतिहास, आफ्रिकेचे फाटभुंयेर

ताचें महत्व, पेपर शब्दाचो उगम, पापिरस पयलींच उपेग करपी इजिप्तीं विशीं, आदी खबर, अशी खूब.

आनीक एक म्हत्वाचो विषय आसा संस्कृतीचो. जी मूल संस्कृती आफ्रिकेंत आशिल्ली ती आतां ना जायत आसा. हे विषयाचेर बरेच परामर्श ह्या पुस्तकांत येतात. सासणाचें सत्य तशें हें प्रतिपादन पळयात -

"खंयचेय एक संस्काराचे उंच आनी एकान आधिपत्य करतना, खाणाची रीति तं बदलच्यांत निमणी आसता. वस्त्रधारण, भास, धर्मु आदी आधुनिक रीतीन जाल्यां तरीय आफ्रिकाकारांक आपले आज्येन रांदिल्ले सारकें परंपरागत रीतीन संथ उज्यार, कसलो मसाला वा मीट आपडायनाशें, ताजे नैसर्गीक रोसांत आनी रुचीन भाजिल्लें मांस तं आतांय पसंत."

संस्कृतीचे नदरेन म्हायतीपूर्ण अशीं सुमार प्रतिपादनां थंय थंय मेळटात. 'केनियांतुले भारतीय' आनी 'तीन व्यत्यस्त संस्कारांतुल्यान' ह्या दोन अध्यायांत हो विषय खुबूच मेळटा. हाचे भायर थोड्या वांट्यांनी कविता आनी तत्वदर्शनां लेगीन झगझगतात. इतर सर्व वांट्यांनी जाल्ले वरी हांगाय परिभाषा भोव बरीच आसा हें स्पष्ट सांगचें पडटा. पळयात -

"मळब एक कॅनवासा लेकान आसा, जाचेर फूडे रचलेलें तृप्ति जावनातिल्ले वरी मेघां नवीं नवीं चित्रां रचूनूच आसाय."

"हांवें विडीयो चित्रांवचे अर्द घंट्या पूरा समयूय एक मिनुलें सवणे उंच एक खांद्यार बेसून चिंवचिंव करत राबलेलें. उंच आशिल्ले देवदारु रुकांचे कांट्यांचेर साकून दोवा थेंबे मिजे गोमटे मागशी पडत राबलेले. गोव्ल्फ लिंक्साचे बरें पालपोसवण केल्लेले एक तणामळार साकून दोवाचीं लिकलिकेंवचीं रूपां उंच चडतालीं आनी भोंवतणे प्रदेश सामको जादूचो जालो."

"पुसूक जावनातिल्ले लेकान एक चित्र मिजे मनांत कोरांतून घाल्लेल्या वरी पडल्यां - मसाई मारांत आपले लांब बड्येर तेंकून आपले गोरवांक चरोवन एकलोच राबलेले एक मसाई चेड्याचें. ताचें होडलें निडळ आफ्रिकेनी सूर्याचे रकरकी वोतांत तकतकेतालें. ताजे फूडे ताजो बापा आनी ताजाकय फूडे ताजे पूर्वज अशीच राबलेले आसतले. त्याच जाग्यार गोरवांक राखून. शताब्दां शताब्दां आदीं, रोमा राज्याचे उदय आनी अस्ताचे कालाक, क्रिस्तुदेव भूमीचेर भोवलेले कालाक, पिरेमिडां बांदलेले कालाक.."

आनी थेट व्यत्यस्त अशे दोन अध्याय जावन आसात 'पत्रवोडो' तशीच 'अंडो मामु'. घडितां घडणुकां भोंवतणी विणलेल्या ह्या अध्यायांनी विनोद आनी उमेदी मनोरंजन आसता.

निमण्या पुर्विल्ल्या अध्यायांनी आसता लेखकाली जिणे काणीच. कुटुंब सहित वतना अवचीत जाल्लो काराचो भीतिजनक अपघात आनी ताचीं पश्चात घडितां. दुखद खिणां आनी उद्वेगाचे दीस. प्रत्याशा, परतून निराशा, आखांत, आनी मागीर मायदेशांत परतून येवपाचो निर्णय.

'आफ्रिकेक अलविदा' दिवपाच्या निमण्या अध्यायांत आसा लेखकालें निरोपाचें भाषणूच, जें अतीव हृद्स्पर्शक आनी भावूक जावन आसा. दोन वर्षां आदीं जेन्ना तो ह्या गांवांत येवपाक एकलोच भायर सरिल्लो, तेन्ना ताचें मन आकुळपिकुळ जाल्लें - कारण तो आपल्या घरच्यांक थंयच सोडून एक अनवळखी वाठराक एकटोच वतालो. पूण घराची जी ओड ताका तेन्ना दिसलेली ते सारकी एक अथ्रेकणी, अजाप, आतांय भोगताली! कांय काळांत एकटो, आनीक कांय काळांक सकुटुंबय राबितो करून ह्या अनन्य गांवांतले अनन्य जिणेची ताका ते साबार गोडी लागल्ली. आनी ताका कळटालें - सोडून वची ती जीण सोडुनूच वच्चेली, परत कदापि मेळचेली न्हय.

वाचन सोंपयतना एक अनवळखी वाठार निकट, प्रत्यक्ष पळयल्ल्याचो अणभव आमकां मेळटाच खरो, पूण काळजाच्या त्या कोनशान एक अव्यक्तशी अथ्रेकणीय दिसता. लेखकाली अनन्य अशे जीण आतां आमच्या जिणेचोय एक वांटो कशी जाल्या म्हूण आमी वळखतात.

ह्या पुस्तकाक प्रस्तावना बरोवंक बेसतना, हें एक भाषांतर अशें म्हाका दिसूंक ना. वाचनांत खंयीच कसलीच आडखळूय दिसूंक ना. नीज, अस्सल कोंकणी पुस्तक वाचूचे रुचीनच हांवे हें वाचल्यां. देखून ह्या पुस्तकाचें जितलें श्रेय मूल लेखकाक फाव, तितलेंच श्रेय परिभाषिकेकूय फाव जावन आसा. हे कृतीचो मूल लेखक श्री. सुधाकर आर. पै म्हणल्यार हाची परिभाषिका श्रीमती सूर्या अशोक हांगेलो म्हालगडो भाव. अशें, भाव-भयणीच्या लागच्या नात्यान, रगता नात्यान, ह्या भाषांतराक बरी संपुष्टी मेळ्ळ्या. खरें म्हळ्यार, ह्या दोग भांवडांली ही एक अप्रूप जुगलबंदी! हाचो आमी सगळ्यांनी खूब खूब आस्वाद घेवंया.

उजवाडाचें ताट

(श्री. वा. लक्ष्मण प्रभु हांगेल्या 'काळकांतु उजवाडु' ह्या कथासंग्रहाक 2012 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना.)



ज्या हरद्यांत मनीशमोग आसता, जंय मनीशजाती वयलो विश्वास दृढ आनी अखंड आसता, थंयचान आपशींच उजवाड फांकता. जेन्ना तश्या हरद्याचो धनी एक साहित्यिक आसता, तेन्ना ताचे लिखणे वयल्यान तो उजवाड चोयवशीं पयस पयस पसरता.

साहित्याची आनी साहित्यिकाची हीच खरी उपयुक्तताय. संवसार जर साहित्याक अमोलीक म्हूण मानता जाल्यार ताचें मुख्य कारण हीच उपयुक्तताय, जी मनीशजाती खातीर खूब गरजेची जावन आसा. अक्षय उजवाडाचो झरो तश्या सूर्या भशेन परजळपी अतुल आनी अमूल्य साहित्य आमी भारतीयांचें पुनीत पैतृक. खरें म्हणल्यार आमी इतले भाग्यवंत कीं आमच्या वांट्याक आयिल्लो तो उजवाड आमी फकत वांटल्यारीच जाता. पूण ह्या आमच्याय हरद्यांत आसात उजवाडाचे एकेक झरे, आमचेच अशे. आसूं हे खंयचे एके पणटे भशेन नम्र, ना जाल्यार जोगला भशेन खिणयाळे, तरीय हे झरे उजवाडाचेच. हांकां ल्हान म्हणूं कशी? बाकीबाबान सांगुनूच दवरलां - "एक पणटी भितर पेट्टा, ती जगय रे ती जगय..... उजवाडा कोणेय पापया, ल्हान केन्ना म्हणचें न्हय!"

ह्या वरी 'काळकांतु उजवाडु' घेवन येंवच्यो तश्यो ह्यो काणयो. हयकारी भावनेच्यो. सरळ आनी प्रसादात्मक. काणयांच्या नियाळा कडेन हांव वचना आनी कथानकांचो परामर्शूय करीना. सामान्य रूपान सांगचें जाल्यार ह्या काण्यांतलीं पात्रां लेखकाल्या तत्वांचो, दर्शनांचो आनी वीक्षणांचो साक्षात्कार घडोवपी मूर्तिमंत उपकरणांच. आनी काण्यांचो विषय जावं खंयचोय - 'जीविताचो सायाह्नु' वा 'मातृसंकल्प' वा 'वयलेलें लुवंचीं' - हांचो एक सामान्य स्वभाव म्हळ्यार एके अर्धपारदर्शकताय. ह्या काण्यांतल्यान

लेखकालो मनीशमोग आनी मनीशजाती वयलो भरंवसोच आमचे दृष्टींत पडटा. संवसारांतल्या समस्त भाव भयण्यां कडे तांचे म्हण्णें दिसता अशें - 'तुमी माका जाय!'

ह्या पात्रांची शक्त म्हळ्यार तांची भितल्ली शक्त, तांचें आत्मबळ. ल्हान सान संभवांतल्यान वा फांत्यावेल्या सपनांतल्यान तांकां सारको मार्ग दिसता. तांच्या दोळ्यांत आयचो सोडून फायचोय दीस उदेता. जाल्यार तांकां कालच्या दिसाचो विसर पडटा अशेंय ना. पोरन्या एका काळाचे स्पष्ट आनी जीवे उडगासय ह्या काण्यांनी पळोवंक मेळटात. आपालिपा खेळटल्या पावसाक हारवोवन शेण्यो सुकोवपी एके मावम्मालें चित्र हाचें उजळ अशें एक उदाहरण मात्र.

म्हणुनूच ह्यो काणयो वाचनीय थारतात, आस्वाद्य थारतात, आनी वाचकांल्या अंतरांत उजवाड ओतपी जावन आसात. अश्या अक्षर दीव्यांचें हें मंगलमय ताट समस्त कोंकणी वाचक सहर्ष स्वीकारतले म्हूण हांव विश्वास पावंतां. लेखक श्री. वासुदेव लक्ष्मण प्रभु हांकां अभिनन्दन आनी उपाट आशंसा.

भुरगेपणाच्या आंगणांत

(श्रीमती सोमलता आर. पै हांगेल्या ‘आमगेल्यो लोककाण्यो’ ह्या पुस्तकाक 2013 वर्सा बरयिल्ली प्रस्तावना. श्रीमती सूर्या अशोक हांणी ह्या पुस्तकाचें संकलन, संपादन आनी लिप्यंतरण केलां. पुस्तकांतलीं रेखाचित्रां श्री. सुधाकर आर. पै हांणी रचल्यांत.)

कोंकणी लोकवेद सांबाळून दवरच्या कामांत आतां केवल व्यक्तींच न्हय तर, थोड्यो संस्थोय सक्रिय जाल्याय. लोकगीत, लोककाण्यो आदी उडगास आसलेल्या म्हालगड्यांक भेटून वा तांकां आपोवन हाडून, तांच्या गायनाचें, कथनाचें ध्वनिमुद्रण करून मागीर तें सर्व पुस्तक रूपान संकलन संपादन करून उजवाडा आयल्यां. म्हणी, हुमाणीं, वाक्प्रचार, आदीय उजवाडा हाडल्यांय. संबंदी विषयांचेर थोड्यांनी सोद वावर केला आनी तेंय बी चड उणे प्रकाशित जाल्यां. केरळच्या कोंकणी लोकवेदाची सामान्य वळख आनी माहिती दिवपी एक लघु पुस्तक (लोकधन) म्हजेंय म्हूण आसा.

जाल्यार हांवें आतां मेरेन आयकूनातिल्ल्यो जायत्यो लोककाण्यो ह्या संग्रहांत माका वाचूक मेळ्ळ्यो म्हूण खूब आनन्द जाला. मात्र न्हय, हें पुस्तक 'आमगेल्यो लोककाण्यो' हांवें आज मेरेन वाचलेल्या पळयल्ल्या कोंकणी लोककथा संग्रहां पैकीं बरेंचशें वेगळें जावन दिसल्यां. ह्या पुस्तकाचें लक्ष्य केवल लोककाण्यो ‘सांबाळप' न्हय आसून, लोककाण्यांचो सक्रिय, सजीव, आनी सप्रेम प्रचारूच म्हूण व्यक्त जाता. ह्यो काण्यो भुरग्यांक तांचे आवयकडल्यान वा आज्येकडल्यान कश्यो मेळताल्यो, चड उणे तेच वरी उपाट मायेमोगान, घरगुत्या उतरांनी ह्या संग्रहांत समाविष्ट जाल्याय. कथनमाधुर्याचो उणाव दूरा करूक म्हूण पाना पानावेलीं देखदिणीं रेखाचित्रांय आसाय.

काण्यांतले योग्य संदर्भ सरस आनी कुशल चित्रांनी अशी सजयल्याय दिकून सगल्योय काण्यो प्रत्यक्ष आवय समक्षांतूच आयकिल्ले वरी दिसतलें. म्हजेय बाबतींत अशी जाल्यां. पुस्तक वाचून सरतना हांतूं चित्रायलींनाय असलींय थोडीं चित्रां, भुरगेपणाचीं, म्हजे अंतर्मनांत झळकलीं. आनी एक मुखामळ, म्हजेच सर्गेस्त आवयचें, म्हज्या दोळ्यां मुखार उदेलें. पुस्तकाच्या आनीकय खूब वाचकांक समान अणभव मेळतलो म्हूण माका विश्वास मात्र न्हय खात्रीच आसा!

देवा परमात्म्यान आवसूंक सृष्टी केल्यो खंय, संवसारांत सगलेय कडेन आपण्याले हात बोट फाव तशें पावना म्हणून! जगांत आवसूचें महत्व केदें कितलें म्हूण समजुपी समजावपी म्हण ही. आवसूलो मोग जितलो सरळ आनी सुलभ, तितलोच तो अप्रूप आनी अनुपम. ताका तुला ना म्हळ्यार नाच्च. आनी ताचे फाटल्यान कसलेंच म्हूण एक कारणय नासता. निमित्त वा हेतू, अट वा शर्त, न्याय वा युक्ती, आशा वा प्रतीक्षा असलें कसलेंच नासता, किसकूट लेगीत. आनी ती ममता केन्नाच म्हूण आटून वचय ना. येदीशी उणे लेगीत जायना म्हणचेंच वास्तव.

त्या मोगाक लागून सुमार वेगळींय कार्यां आवसूकडल्यान मेळताय. भास मेळता. भोंवतणेची, संवसाराची वळख, माहिती मेळता. बऱ्या वायटाचें ज्ञान मेळता. आमी हासूंक शिकताय लेगीत खरेपणीं तिचेच कडल्यान! आमचे खातीर ती गींत म्हणता, आनी काण्योय सांगता. ते गींत खंयचे? त्यो काण्यो खंयच्यो? जे गींत आनी ज्यो काण्यो तिका तिचे आवयकडल्यान आनी आज्येकडल्यान मेळ्ळे तेच गींत, त्योच काण्यो ती आपल्या भुरग्यांक आनी मागीर भुरग्यांल्या भुरग्यांक वांटून दिता, ओतून दिता. आमी लोकगीत म्हणचे ते हेच. आमी लोककाण्यो म्हणताय त्यो ह्योच!

म्हणतना लोकवेद सांबाळून दवरप हाचो अर्थ आवयमोग सांबाळून दवरप असोच जाता. आनी मोग सांबाळप म्हळ्यार कितें? इतर धनसंपदा सांबाळपा वरी न्हय तें. एकठावप न्हय कार्य! उरफाटें, वांटप आनी विर्कप! हे वरी आमी लोकवेदूय सांबाळतलीं जाल्यार तो चड चड जाणांकडे चडांत चड पावोवपाचें काम जाय करूंक.

हेंच एक धन्य ध्येय ह्या पुस्तका फाटल्यान उठून दिसता. श्रीमती सोमलता पै हांणी ह्यो काण्यो कितल्याच वर्सांनी आपल्या मना काळजांत राकून दवरल्यो. जे तांचे आवसून तांकां ह्यो सांगून दिल्यो तिगेल्या तेजिष्ट उडगासा सहित राकून दवरल्यो. आपल्या भुरग्यांक आनी नातरांक प्रती एक पावट ह्यो सांगून दितनाय तांणी आपण्याक मेळ्ळो तो आवयमोग सांबाळपाचें धन्य कार्यच केल्यां. आतां परतून ह्यो पुंजायतनाय

आपल्या भुरगेपणाची स्मरणा घेवनु आपल्या मनांत स्पष्ट उदेलेल्या आवय सहित जायत्यांचो उडगास तांणी मुद्दम केलाय.

काण्यो वेंचून संकलन संपादन आनी लिप्यंतरण केलेले श्रीमती सूर्या अशोक हांणी आपल्याय उतरांनी आवयची, आवयमोगाची आनी भुरगेपणाची याद घेतल्या. अनुयोज्य, अर्थपूर्ण आनी भावनात्मक चित्रांनी हें पुस्तक अत्यंत आकर्षक केल्यां श्री. सुधाकर पै हांणी, जो श्रीमती सोमलता पै हांगेलो व्हडलो पूत आनी श्रीमती सूर्या अशोक हांचो म्हालगडो भाव. काण्यांची रुची घेवन, रसलीन जावन, सानन्द रचलेल्या ह्या चित्रांचे सुंदरायेंत तागेलो भुरगेपणाचो उडगास, आवयकडलो मोग आनी आवय भाषेंतल्या ह्या अप्रूप काण्यांकडली ओड थळथळता. Dimension आनी Perspective हांचे नदरेन हांतूलीं थोडीं चित्रां खास वेगळींचशीं आसाय. चित्रपट उतरावळेन Hitchcock Angle म्हणताय तें लेगीत एकेकदां वापरल्यां!

ह्या प्रकारीं सानांकय व्हडांकय एक वरीच आवडपी, एकवरीच उपयोगप्रद असलें हें संकलन उत्तम रूपान तयार केलेल्यांत ह्या तेगांय जाणांक कितलींय परबीं दिवं, चड जावंचींनाय! ते वरी महत्वाचो, अर्थपूर्ण आनी धन्य वाव्र हो. कोंकणी लोककाण्यांच्या प्रचाराच्या ह्या वावराक आमी सर्वांनी आत्मार्थ रूपान, साध्य त्या सर्वय प्रमाणीं फाटबल दिवंया.

हो हारसो फटयना

(श्रीमती सूर्या अशोक हांगेल्या 'दर्पण' ह्या कथासंग्रहाक 2015 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना.)



संवसारांत जें कितें घडता तांतूलें थोडें भोव आमकां खबरां पत्रांनी वाचूंक मेळता. फाटीं एक कालार तें जशा तशेंच वाचूंक मेळतालें, पूण आतां तें तशें ना. आतां खंयचेंय घडीत मातशें चड वा उणे केले बगर खंयच्याय पत्राचेर येना. स्वल्प पुणीय मीट मिरसांग लायिल्ले शिवाय पत्रकारिता पूर्ण जायना आसत! अश्या ह्या आधुनिक युगांत, जेन्ना पत्रकार लेगीत कथा सांगूक निपुण जाल्याय, तेन्ना सृजनशील साहित्यिकांनी - कवी जावं वा कथाकार - साहित्य निर्मणेक खबरां पत्रांतल्या घडितांचो उपेग घेवपांत व्हडलोसो अर्थ ना.

खंयच्याय पत्रांत आयल्योनाय आनी येवंच्योय नाय तश्यो कितल्योशोच सान व्हड घडणुको संवसारांत सगलेय कडे, चोवीस वरांय घडतूच आसाय. संवसारांत विशेष कसलोच बदल त्यो हाडिनाय आसत. जाल्यार तांतूल्यो थोड्यो घडणुको खूब म्हत्वाच्यो, चड करून जिज्ञासू आनी जागरूक अश्या एक साहित्यिकाले नदरेन. जो साहित्यिक उत्सुक आसा मनशांल्या मनोविचारां विशीं, मनशांल्या भावविश्वा विशीं आनी मनशां मनशां मदल्या नात्या संबंदा विशीं, ताचे नदरेन. पत्रकारांक तसल्यांनी फायदो ना. पूण एक सृजनशील साहित्यिकाले कलात्मक अशे कल्पनेंतल्यान तांची आकर्षक पुनर्जनी जाता - एक सादी कीड कशी पिसोळें जाता ते भशेन. हांतूच आसा ताची प्रतिभा. ताका कसल्याय मसाल्याची गरजूच भासना. ताचे विणेच तागेले सृष्टींक सुगंध आसा, रूच आसा आनी गुणय आसा.

ह्या कथासंग्रहांतल्यो दर एक कथा वाचतना वाचप्याक हें कार्य कळतलें, स्पश्ट कळतलें आनी दुबावा विरयत कळतलें.

श्रीमती सूर्या अशोक हांचो हो दूसरो कथासंग्रह. तांगेल्या 'पुनर्जनी' नांवांच्या त्या पयल्या संग्रहा उपरांतें एक दशक जालें आसतना हो आतां उजवाडा येता आसा. मदल्या काळांत तांच्यो सात कृती उजवाडा आयल्यो आनी तांतुल्या तीन व्यत्यस्त कृतींक राष्ट्रीय तला वयले तीन व्यत्यस्त अशे प्रतिष्ठित पुरस्कार फावो जाले. हीं पुस्तकां जाणीं खरींच वाचल्यांय तांकां हांतूं कसलेंच अजाप दिसचें ना. कारण, ते वरी दर्जेदार आसाय हीं पुस्तकां.

आतां ह्या नव्या कथासंग्रहा विशीं सांगचें जाल्यार, बरेच विविधतायेच्या फुलांनी भरिल्लें हें एक उद्यान कशें. ह्यो कथा एक एक करून वाचता वाचतां वाचप्याल्या काळजांत, मनांत आनी तोंडारीय बी वेगवेगळे उमाळे, अनुभूती उदेताय. आजून परकी आशिल्ल्या जायत्यांची ताका लागची वळख मेळता. इतलेंच न्हय तर, परिचित व्यक्तींची लेगित नव्यांत नवी वळख मेळता. संवसाराचे विविधतायेचीं प्रतिबिंबां लिकलिकपी हें दर्पण खूब खाशेलें.

थोड्यान वाचप्याक दिसता - 'हय, अशें हें म्हजेय वांट्याक आयल्यां!' एकाद्या वाचप्याक ताणें आपल्याच काळजाच्या मौनांत येद्दोळ बंद दवरिल्लें कांय कितें लेगित ह्या पानांनी वाचूक मेळत!

आमी वाचपी कित्या खातीर कथा वाचताय? कथा वाचून आमकां हासपाचें आसा काय रडपाचें? वा फकत टायम पास म्हणून कितें? आमचो सोद आसा उदात्त चिंतेचो काय नाजूक अनुभूतीचो? तें ना, आमी आपल्या अनुभव विश्वाचो आवांठ वाडोवंक इच्छुक आसाय? आमचें वाचन परण्या आचारांच्या कवतुकान काय नव्या विचारांचे ओडीन?

आनी पळय जाल्यार ह्या संग्रहांत हें सगलेंय आसा!

हांतूं मनशांले कांय विशिष्ट गूण दिकतना मनीश जाती वयलो आमचो भरवंसो वाढता. जाल्यार आनीक एकदां तागेल्योच हीन करण्यो आमच्या दोळ्यां मुकार काळोख हाडता. मनशांल्या एकमेकां कडल्या संबंदांत कितलें माधुर्य, कितलें आपलेंपण शक्य आसा म्हूण आमकां विस्मय जाता. जाल्यार उरफाटीं, कितलोच हृदयशून्य जावंकूय तो फाटीं ना म्हणूय आमकां जाण मेळता. आपणाक जन्म दिलेले आवसूक विसरूक लेगित ताका चड वेळ कांय नाका जाला. हांतूल्यो कांय कथा अश्यो कीं त्यो वाचतना आमच्या काळजा वयर फातोर चडोवन दवरिल्ले वरी जाता. तांतूल्या

मनशांले चिड्डिल्ले हुंडके आनी भितरलो घुसमुट आमच्या काळजा मेरेन पाविल्ले बगर राबना.

ह्यो कथा कांय मुद्देय हाताळताय - सदळ जावपी नातीं आनी ताचे परिणाम; सोन्याची आसक्ती आनी ताचे परिणाम; शारीकरण; अप्रसक्त जालेले कांय आचार; वाट चुकपी युवजन; जातक-स्त्रीधनांचीं चक्रव्यूहां; वृद्धजनांली दैन्यावस्था; समूहाचीं कांय वीक्षणवैकल्यां, आदी. अशी ह्या संग्रहांत कितें कितें आसा म्हूण सांगचे बरोबर हांतूं कितें ना म्हूण सांगचेंय एक प्रसक्त कार्य. ना म्हळ्यार एकच, आमकां उबगण दिवपी जावन हांतूं एक पान लेगित ना!

जाल्यार वाचप्याल्या मनोरंजना खातीर म्हूण कांय तरी मुद्दम भरसिलेंय ना. महाकार्यां करपी 'हिरो' जावं महापापां करपी 'विल्लन' जावं हांतूं येना. संभाषणां, आत्मगतां आनी वर्णन अश्यांनी ह्यो कथा घडयल्याय. संग्रहांत ह्या तीन आंगांकय तुल्य रूपाचें प्राधान्य आसा. वर्णनेंतल्यान आनी आत्मगतांतल्यान कथा मुकारसता तेन्ना जी सहजताय दिसून येता, तितलेच सहजतायेन संभाषणांय हाताळपांत लेखिका जैतवंत जाल्या. वेगवेगळ्या पात्रांची खाशेली संभाषण शैली जशा तशी दिल्लीय आसा.

वास्तविक सहजताय, हो गूण ह्या कथांचो मुळावो आनी तशीच व्हडांतुलो व्हड एक गूण. हो गूण कथावस्तूंक आसा, घडणुकांक आनी पात्रांक आसा, संभाषणांक आनी आत्मगतांक आसा, तशीच उडगासांकय आसा. देखून ही एक अनुग्रहीत लिखणी म्हणूक वेगळी गवाय वा पुरावो नाका. हे लिखणेन उबो केलोलो हो हारसो वास्तवांचो हारसो. हो आमकां फटयना..

ध्येय तेंच श्रेय

(श्री. पी. गोपिनाथ कामत हांगेल्या 'नवतरंग' शीर्षक कथासंग्रहाक 2018 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना.)



केरळचे अनुग्रहीत कोंकणी कथाकार श्री. पी. गोपिनाथ कामत हांगेलो हो तिसरो कथासंग्रह. केरळांतल्या कोंकणी साहित्यरंगार कथाकारांचो उणाव नासत तरीय कथापुस्तकांचो उणाव आसाच. तसलो उणाव उणे करचे दिशेन हें एक बरें योगदान. ताजे भायर हो कथासंग्रह ह्या रंगावेलो एक मैलांफातर म्हणूय सांगूयात. तीन कथासंग्रह उजवाडावपी अशे केरळचे एकमात्र कोंकणी लेखक हे! तेंवय बी एकच एक दशकाच्या वेळान!

चार दशकां आदी 'कोंकणी कथाष्टक' (1978) आनी 'काण्यां घोस' (1979) अश्या प्रातिनिधिक कथासंग्रहांनी हांगेल्यो आद्यकाल कथा उजवाडा आयलेल्यो. ते तरणे प्रायेरीच हांकां अखिल केरळ तलावेल्या कोंकणी कथारचना मत्सरांत प्रथम पुरस्कारूय मेळिल्लो.

जाल्यार हांगेलोच म्हूण एक कथासंग्रह उजवाडा आयलोलो मात 2008 वर्षा - 'काण्यो, घरा घराच्यो'. ताचें प्रकाशन अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचे 26 वे अधिवेशनाचे माचयेर, कोचींत जालेलें. मागीर हांगेलो दुशेरो कथासंग्रह 'सप्तसरणी' 2010 वर्षा उजवाडा आयलो, आनी ताचें प्रकाशन अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचे 27 वे अधिवेशनाचे माचयेर, गोंयांत जालेलें.

ते मदीं 2009 वर्षा हांकां केरळ कोंकणी अकादमीचो 'पंडरीनाथ भुवनेन्द्र' साहित्य पुरस्कारुय प्राप्त जालो.

हांगेल्या प्रथम संग्रहांत धा काणियो आशिल्यो जाल्यार दूसऱ्या संग्रहांत सात काणियो. आनी आतां ह्या संग्रहांत णव काणियो आसाय. म्हणुनूच हाचें नांव 'नवतरंग' अशें दवरल्यां.

हे भशेन फाटल्या चाळीस वर्षांनी कोंकणी कथा साहित्याक इतलेंच योगदान मनापासून दिवपी अशे लेखक केरळांत तितलेच थोडे आसात. अशी केरळच्या कोंकणी साहित्य इतिहासांत हांकां विशेष स्थान आसा.

हांगेल्या कथां विशीं सांगतना ह्या गेलेल्या काला विशींय सांगुका जावन आसा. जावन गेलेल्या चार दशकांच्या काळान आमच्या सगल्यांच्या जीवितांत खूब खूब परिवर्तन आयलें. परणें कितलें गेलें आनी नवें कितलें आयलें म्हूण सांगूक जायना. जीण बदल्ली. वीक्षण बदल्लें. विचार बदल्ले. ह्या काण्यांतूय ह्या सगल्यांचें प्रतिबिंब दिसता. काल्पनिक उणे जाल्यां, आनी वास्तविक चड जाल्यां. सांगपाच्यो काणियो गेल्यो, समजुपाच्यो कथा आयल्यो. गेलें तें सिंहावलोकन, आयलें सूक्ष्मावलोकन.

वेगळ्या वेगळ्या वाठारांनी वांटून गेलेल्या कोंकणी जनांक ह्या पुस्तकांत एक आगळो वाठार दिसतलो. दूरच्या आपल्या भांवडांली वळख मेळतली. हेंच आसा ह्या कथांचे ध्येय आनी श्रेय.

दोन उतरां

(श्री. ए. पी. भानुप्रकाश हांगेल्या 'श्री दत्तात्रेय देव अवतारु' शीर्षक नृत्यनाटकाच्या पुस्तकाक 2018 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना.)



श्री. ए.पी. भानुप्रकाण हान्नी रचिल्लें 'श्री दत्तात्रेय देव अवतारु' बाले (ballet) पुस्तक कोंकणी सरस्वतीचे भांडारांत एक नवें समर्पण जावन आसा. हांगेलें काव्यपुस्तक 'काव्यहार' चार वर्षों आदी उजवाडा आयलां. तांतु थाकून व्यत्यस्त जावन ह्या नव्या पुस्तकांत संगीतबद्ध गीत आसाय आनी नाटकीय संभाषण आसा.

रंगवेदीचेर अवतरण करूक तयार केलेल्या ह्या नृत्य नाटकाक दृश्य श्राव्य रूप मेळ्ळ्यार हें बहु मनोहर जातलें म्हळ्ळेल्यांत संशय ना.

ह्या नृत्य नाटकाची कथा बहु पुराणप्रासिद्ध. 'श्री दत्तात्रेय' म्हळ्यार ब्रह्मा, विष्णू अनी महेश्वर ह्या तीनीय देवांचें एकत्रित चैतन्य. अत्री महर्षी आनी अनसूया देवीचो सुपुत्र हो. अनसूया देवीक वरदान जावन मेळ्ळोलो पूत. तो स्वयं एक महर्षी.

लिखित साहित्याकय रंगवेदीकय एकवरीच परिपोषण करप सरळ कार्य न्हय. जाल्यार श्री. ए. पी. भानुप्रकाश हे दोनीय शाखेंतल्यान आवयभास कोंकणीची सेवा करीत आयल्यात. हाचे भायर हान्नी 'चालीस वर्षा फुला रूकु' म्हळ्ळेले विडियो आविष्कारांतूय एक कथापात्राक जीव दिला. असल्या समस्त रंगार हान्नी खूब जनप्रीतीय जोडल्या.

हांगेल्या असल्या बहुमुखी प्रतिभेक अभिनंदन करूक माका होड संतोष आसा. मुकारीय जनप्रिय रूपान कोंकणी मातेची चड चड सेवा करूक हांकां भाग्य मेळो म्हूण आशंसा दितां.

काव्यकांती

(श्री. कलाकान्त हांगेल्या 'कला काव्य' शीर्षक कवितासंग्रहाक 2018 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना.)



तीन दशकां पूर्वीं कोचींत 'युवप्रतिभा' म्हूण एक हातबरपाचें नेमाळें तेदनाचे थोडे युवक नेमान उजवाडायताले. खूब वर्षांक तें चालू आशिल्लें. तेन्ना ताचेर कविता बरोवपी आनी ताच्या संपादन कार्यांत सहभाग दिवपी आशिल्ले श्री. कलाकान्त. उपरांत ताचेवेल्यो वेगवेगळ्या बरोवप्यांल्यो थोड्यो कविता वेंचून 1992 वर्षा 'फुलां आनी कोळे' म्हूण एक कविता संग्रह उजवाडाक आयलो. त्या संग्रहांत हांचीय कविता आशिल्ली. 1999 वर्षा हांवें 'काव्योद्यान' म्हूण एक प्रातिनिधिक कविता संग्रह उजवाडाक हाडतना तातूंय हांच्या एक भावात्मक कवितेचो आस्पाव केलोलो. हाचे भायर 'कोंकण जनता', 'स्पन्दन', आदी नेमाळ्यांनी हांच्यो कविता मदीं मदीं उजवाडा आयल्यो. अश्या हांच्या कवितांचे कार्य सांगल्यार खंयच्या एक झाडार नेमान जावपी फुलां वरी ह्यो कविता. वेंचून गांथून हाची एक माळ जावंचाक थोडो वेळ लागलो इतलेंच! जाल्यार एक व्यत्यास आसा. फुला झाडार केवल एक तराचीं फुलां जाताय. पूण ह्या हारांत तरातराचीं कवनफुलां आसाय!

अशे तरेन तरातराच्या फुलांची माळ गांथून देवळांत दीवन तांतु सायूज्य पावंपी अशें एक कथापात्र ह्या पानां भितरूय तुमकां मेळतलें! जाल्यार कवीन तागेल्या काव्यफुलांचो हार दवरला तो आमचे मुकार! असलो तागेलो अप्रूप काव्यहार आमचे मुकार प्रस्तुत आसा म्हण्टना आमी हाचो भरपूर आस्वाद घेवंया!

फाटल्या कितल्याच दशकांनी रचलेल्यो कविता हांतुं आसाय म्हणिल्ल्यान हांच्यांनी कवीलें बाल्य आनी भुरगेपणूय आमकां पळोवंक मेळता.

जेन्ना 'किणिमाम' काणी सांगता, जेन्ना 'शाळा' उगडता, जेन्ना देवळांत 'आराट' येता, तेन्ना आमकां आमचेंच बाल्य उलो मारता! हांतुल्यो थोड्यो कविता - 'संसार पाडवो', 'नीद', 'पै माम', 'फूल सोदून' - वर्णना आनी विनोदाच्यो भावना जुळोवन आमकां भुलयताय. कवीले अणभव उतरांनी चितारपी कविता म्हळ्यार - 'गीम', 'पावस' आदी. थोड्या कवितांनी उपदेशाचो, मार्गदर्शनाचो सूर आसता - देशाची सेवा करूंया, त्यागी वृत्तीच्या वृक्षांची देख घेवंया, अशी. 'जागेर यो मनशा, तुजीं कर्तव्यां तुका आपयताय!' असो उलो कवीचो.

वेगळ्या थोड्या कवितांनी देवाची भक्ती सहज रूपान थळथळेता. जाल्यार 'सोरंगो' म्हळ्ळेले कवितेंत कवीली तत्वचिंताय प्रकट जाल्या.

ह्यो कविता चड करून निर्मल आनी प्रसन्न भाव प्रकट करपी. उजू मूल्यांचो पुरस्कार करपी. हांतुं लाळित्य आनी माधुर्य उठून दिसता. अशें आसुनूय अप्रूप वेळार कवील्या उतरांनी स्वल्प तीक्ष्णताय येता जाल्यार ताचो कारणकार आयचो मनीशूच!

'फातर काळजांनो!' म्हुण तिडक मारपी कविताच हाचें एक उदाहरण. 'मा निषादा' म्हूण एक उलो आदि कवील्या गळ्यांतल्यान फुटलोलोय समान फाटभुयेंचेर म्हुण सांगूयात. जाल्यार कवील्या आत्म्यांत अशांती ना. ताचो निजाचो भाव शांतीचो.

ह्या रूपान भावात्मक काव्यकांतीन कोंकणी कवितेचो घर संसार शोभित करपी ह्या कवीक म्हजीं परबीं आनी हार्दिक आशंसा.

कवी 'कलाकान्त' हांचें निजाचें नांव 'पी. कृष्णकुमार' अशें.

सत्यनिष्ठेचीं आत्मगतां

(श्री. एन. बालकृष्ण मल्या हांगेल्या 'आत्मगत' ह्या कविता संग्रहाक 2019 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना. ह्या कविता संग्रहाक 2021 वर्साचो ‘गोवा कोंकणी अकादेमी पुरस्कार’ प्राप्त जालो)



जीवितांत आमी जायत्या तराचीं उलोवपां करतात, जायत्या तलावयलीं उलोवपां करतात. जाल्यार तश्या सगल्याय उलोवपां मदीं पुरायपणान प्रमाणीक रूपाचीं उलोवपां म्हळ्यार केवल आमचीं आत्मगतां. हीं आत्मगतां आमकां फटोवंक सोदीनात. आमच्या दोळ्यां पासून कितेंच तरी निपोवंक सोदीनात. खंयच्याय असत्यांक जावं, अर्धसत्यांक सजोवन शिंगारून सत्याच्या पवित्र सिंहासनार बेसोवंकूय सोदीनात. यथार्थ सत्यनिष्ठेचीं उलोवपां म्हळ्यार हीं असलीं आत्मगतांच.

हाचीं उत्तम दृष्टांतां जावन आसात कवि बालकृष्ण मल्यालीं हीं आत्मगतां. संवसाराचो नियाळ घेवन खुद कवीनूच परमार्थ आनी भ्रम हांचे विशीं सांगलां (लोकाची वळखि) आनी 'दोर आनी दीवोड' हें विख्यात उदाहरणूय प्रस्तुत केलां. जें जें दोळ्यांमुखार दिसता तें केवल भ्रमरूपी आसूंयेता आनी ताचें परमार्थ थेट उरफाटें आसूंयेता अशी कवि सांगता. हें केवल सावळेंत काळखांत मात्र न्हय, दिसा उजवाडांत लेगीत घडूंयेता म्हणून आमी सादूर रावचें!

आत्मगतां करप - स्वता लागी उलोवप - हाची आमकां सगल्यांक संवय आसा. खरें म्हळ्यार आत्मगतां करीना असलो मनीश ना! जाल्यार हो कवि कित्याक आत्मगतां करता? हाची जाप 'आत्मगत' हे कवितेंत मेळता. आपूण उलयता तें कोणूच सारखीं समजून घेना, समजून घेवपा खातीर यत्न लेगीत करीना, हे जाणीवांतल्यान कवीन असो निर्णय घेतिल्लो. आनी मागीर कवील्या आत्मगतान कवितेचें रूप धरप हें तर सहज

न्हय! ह्यो कविता वाचतना काव्यरसिकांनी ही गजाल मतींत दवरप गरजेचें. ह्या कवितांनी उक्ताडा येता तें म्हणल्यार कवीचें अंतरंगूच! जशा तशी!

आमी जाणां, जीवित हें एक कुवाडें. मनीश म्हळ्यार आनीक एक कुवाडें! ह्या दोनूय कुवाड्यांचो कवि नियाळ घेता. कांय प्रश्न मांडतना ताका कांय जापोय मेळटात. जाल्यार कवीलीं हीं तत्वचिंतनां वाचकांक ओडून रानांत बी व्हरीनात. काळखाची सावळेची वळख दितनाच तीं उजवाडा कडेन, उजू मूल्यां कडेन, बोट दाखयतात. त्या मूल्यांची वळख घेवन तीं आपणावंचीं म्हूण हळूच आग्रो करतात.

देव ना म्हणप आनी तशेंच देव नाका म्हणप - आयच्या युगांत हांचें संवसारीक 'फैशन' चल्लां. जाल्यार हो कवि आपले हे तरणे प्रायेर लेगीत तश्या 'आधुनिक अत्युच्च' विचारांच्या जाळ्यांत पडूंक ना. ते अज्ञात शक्तीचो परामर्श स्पष्ट रूपान कांय वेंचीक कवितांनी आयला. ती दैवी शक्त अज्ञात आनी अदृश्य आसत तरीय मनशांचेर आनी संवसाराचेर मात तिचो प्रभाव स्पष्ट रूपानूच प्रकट आसा अशी कवीचें मत.

सुख-दु:खांक आमी समभावान आपणावंक जाय, हो संदेश श्रीमद् भगवद् गीतेंत आसा. आनी होच संदेश कवीक तागेल्या बापायकडेचानूय मेळ्ळा (दुखालय अशाश्वत). देखून कवीन तो स्वंत जीवितांतूय आपणायला. एकच नाण्याच्यो ह्यो दोन बाजू म्हणून तो सुखा वरी दु:खा लागीय समान मित्रभावान वागता (सुखासन).

जाल्यार हें केवल व्यक्तिगत जिणेंतूच शक्य आसा. जेन्ना सगल्या समूहाचेर व्हड संकट येता तेन्ना कवीक कसलेच तत्वचिंतेन समाधान मेळना (आनी पडोवंनाका देवा). तो ह्या समूहाचो एक अविभाज्य वांटो म्हणपाक कवीलीं कितलींच उतरां गवाय आसात. आपणाल्या गांवांकडे कवीचें अतूट आनी बलिष्ट नातें आसा. गांवांतल्या जना जनांची, रितुकालांची, परबां उत्सवांची आनी फुला पाल्यांची लेगीत ताका वळख आसा! तांचें वर्णन तर पाना पानांनी तोंड दाखयता. म्हणुनूच सैमाचें चित्रणूय भोव जिवाळ जालां.

आत्मगतांनी आस्त प्रकट जावप सहज. आशेंचे विशीं आनी सपनांचे विशीं कवीची मनोकल्पना आनी शुभाप्तिविश्वास हातूंतल्या वेंचीक कवितांनी थळथळता. आपणाल्या मनाक पतंगा भशेन मळबार उबूंक मेकळीक दितनाच, ताचो धागो आमच्या हातांत भद्र आसूंक जाय असो सल्लो दिवंकूय कवि विसरना!

अशे भशेन खूब विषय कवि बालकृष्ण मल्यान ह्या कवितांनी हाताळ्ळ्यात. कवीलो हो दूसरो झेलो. पयलो झेलो (जीव संकल्प) 2013 वर्सा गोवा कोंकणी अकादेमीचे 'पयलो चंवर' येवजणे खाला उजवाडा आयलोलो. आजून जायत्या प्रमुख

कविसंमेळनांनी हांणी वांटो घेतला, जशी अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचीं, अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेळनांचीं, केन्द्रीय साहित्य अकादेमीचीं, आदी. मंगळूरु कविता ट्रस्टाच्या कविता फेस्तांतूय हांणी आपली कविता प्रस्तुत केल्या. कोंकणी केंद्र, कोची हे संस्थेच्या म्हयनाळ्या कविसंगमांत तर सातत्यान हांची कविता प्रस्तुती जायत आयल्या, आनी वांटेकार कवींची त्या कवितां वयर चर्चाय बी जायत आयल्या. गोंयच्या अर्थ प्रकाशनान घडोवन हाडिल्ल्या अखिल भारतीय कोंकणी कविता सर्तींत (2018) हांकांय एक पुरस्कार मेळ्ळा. वेगवेगळ्या नेमाळ्यांचेर हांगेल्यो कविता प्रकाशित जाल्यात, जशी 'स्पन्दन', 'दीपांकूर', 'भांगर भूंय' आदी.

कविते भायर कथा आनी निबंद हीं माध्यमांय हांणी हाताळ्ळ्यांत. हांगेल्या 'द्वारकावासी अथवा दोरके - एक विश्लेषण' ह्या निबंदाक केरळ कोंकणी अकादमीचो 'पंडरीनाथ भुवनेंद्र साहित्य पुरस्कार' मेळ्ळा. भुरग्यां खातीर कोचींत घडोवन हाडच्या 'कोंकणी सप्ताह' कार्यक्रमांत प्रती वर्सा हांणी सक्रिय वांटो घेतला. मलयाळम भाषेंत हांगेलें एक गद्यपुस्तक आसा - 'होर्तूस मलबारिकूसुम कोंकणिकळुडे पंगुम' (होर्तूस मलबारिकूस आनी तातूंतलो कोंकण्यांलो वांटो) आनी ताचें इंग्लीशींत भाशांतरूय आयलां. ह्या विषया वयर गोयांत घडोवन हाडिल्ल्या राष्ट्रीय परिसंवादांत वांटो घेवन हांणी परिपत्र सादर केल्लेंय आसा.

अक्षरकले भशेन हांकां चित्रकलेंतूय प्रावीण्य आसा. सतराव्या शतकांत कोचीच्या ज्या तेग कोंकणी वैद्यांनी 'होर्तूस मलबारिकूस' ग्रंथावलीचो मूल 'लिव्रु' तयार केलोलो, त्या तेगांलींय कल्पनाचित्रां हांणी रचिल्लीं. उपरांत जेन्ना त्या तेगांच्या नांवार कोचींत एक स्मारक उबें जालें तेन्ना ताच्या उक्तावण समारोहांत कवि बालकृष्ण मल्याचो हे खातीर सन्मानूय जालोलो.

कवि म्हणून श्री बालकृष्ण मल्याक आपलेंच एक व्यक्तित्व आसा हें हांवें वेगळेंच सांगपाची गरज ना. तें ताणें आपल्या कवितेंतल्यानूच सिद्ध केलां. तागेल्यो कविता आगळ्यो वेगळ्यो हें रसिकांक स्पष्ट समजतलें. हाचें कारण तर भोवच सोपें आसा. जी वाट ताणें माडयल्या ती वाट फकत ताचीच जावन आसा, इतर कोणाचीच न्हय! आयच्या संदर्भांत कोंकणी कवितेच्या मळार अश्या कवीची खूब गरज आसा. जेन्ना कवि बालकृष्ण मल्याक आमी बरें भविष्य आशंसितात तेन्ना आमच्यो आशंसा कोंकणी कवितेचेंच भविष्य उजळ करपा दिकान पावंतात.

शुभास्ते पन्थान: सन्तु.

मातसो वेगळोसो एक सांकोव

(श्री. वल्ली क्वाड्रस हांगेल्या 'सांकव' ह्या कथा संग्रहाक 2020 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना.)



'मनीश न्हय एक जुंवो, ताच्यांतूंच संपूर्ण कसो' (No man is an island, entire of itself) - एका कविहृदयांतल्यान भायर सरिल्लीं हीं उतरां कांय शतकां पूर्विल्लीं जावन आसात. जाल्यार आजच्या काळांत हो विचार तितलोच खरो म्हूण सांगूक जायना. आजच्या संवसारांत 'प्रत्येक मनीश एक जुंवो, ताच्यांतूंच संपूर्ण असो.' म्हूण उरफाटें सांगल्यार लेगीत अतिताय जावंची ना. हे फाटभुंयेर, अश्या वेळाकाळार, साहित्य फकत समाजाचो हारसो म्हूण आसून उपकरना. ताणें मनशा मनशा मदीं एकवट सादपाची, जुंव्या जुंव्या मदलो सांकोव जावपाची गरज आसा. बाब वल्ली क्वाड्रस हांचो हो समग्र कथासंग्रह म्हणल्यार असलो एक सांकोव म्हूण सांगूं येता. मात्र न्हय, हें पुस्तक वाचता वाचतां रसिकांक हातूंत आनीक एक नमून्याचो सांकोव भासतलो. कालचो गांव आनी आजचें शार हांचो मदलो एक सांकोव. मागीर पळयल्यार ह्या सांकवाच्या एके तरफेन आमकां प्रत्याशा दिसतली जाल्यार दुसरे तरफेन निरशेणी. हांचेय भायर कांय द्वंद्वां दिसलीं जाल्यारूय अजाप ना. अशे भशेन मातसो वेगळोसो एक सांकोव हो म्हणल्यार जाता.

ह्या संग्रहाची एक विशेषताय म्हणल्यार हातूंतल्या काणियांक एकठांय मेळोवन अमक्या एका प्रदेशाच्यो काणियो म्हूण शिक्को मारूंक जायना, जशी आमी सहज साधारण करतात. कित्या म्हणल्यार, कितल्याशाच गांवां शारांतलीं, तशेंच मेट्रोसिटींनी आनी विदेशांत लेगीत राबून आसचीं मनशां, जाणटीं आनी तरणीं, गरीब आनी गिरेस्त, निश्पाप आनी चालाक, अशी खूब तराचीं मनशां ह्या काणियांनी मेळटात. तश्या

सगल्यांची काणी आनी जिणीय बी हातूंत आसा. एके केरळकार बायल मनशेची मोनी व्यथा लेगीत हृदयस्पर्शी रूपान चितारिल्ली आमकां पळोवंक मेळटा.

ह्यो काणियो हांगा एकत्रित पळयतना हांचो लेखक हो एकलोच म्हूण आमकां कळटा शिवाय ह्यो जरी वेगळ्या वेगळ्या नेमाळ्यांचेर वेगळ्या वेगळ्या दिसांनी वाचूंक मेळ्ळ्यो जाल्यार ह्या सगल्या काणियांचो लेखक एकलोच म्हूण खात्रीन सांगप अशक्य. ते वरी विविधताय ह्या संग्रहांतल्या काणियांनी मेळटा. ह्या संग्रहाची ही आनीक एक विशेषताय म्हणल्यार जाता.

हातूंत घडितांक प्रामुख्य दिवंच्यो काणियो आसात ते वरी व्यक्तिचित्रणांक प्रामुख्य दिवंच्योय आसात. क्षणिक अणभव धरून सासणीक सत्यां मेरेन ह्या काणियांनी प्रभावी रूपान येतात. पूण सहज आनी निरायास जावन येतात. एक सरसामान्य कथापात्राचे जिबेवेल्यान फुटल्लो हो सहज उद्गार आयकात - "कोण जियेता म्हळ्ळी फिकीर नासतल्यांक कोण मोर्ता म्हळ्ळी फिकीर कशी आसची?"

ह्या कथाकाराक सामाजिक स्पंदनांची निकट वळख आशिल्ल्याचें वाचकांक परत परत जाणवता. कांय सामाजिक समस्येंचेर उजवाड घालुंकूय थोड्या काणियांनी साध्य जालां. जाल्यार कथाकार कितेंच नीट सांगीना, फकत सुचयता इतलेंच. पूण तागेलेंय लक्ष्य म्हणल्यार 'झेमेवंच्या समाजाक जागोवप आनी ताचे नदरेंत वैचारिक दृष्टी भरप.'

एकेक कथाय जीविताचो एकेक कुडको, एकेक परिच्छेद, आमचे मुखार सादर करता. जीवित म्हळ्या व्हडल्या पुस्तकाचीं हीं पुंजायल्लीं पानां म्हूण सांगूं येता. जाल्यार अश्या ह्या पानांनी कितें कितें आसा म्हूण वेंचून सांगपूच कठिन. म्हणटना, हातूंत कितें ना म्हूण सोदपांत व्हडलोसो अर्थ ना.

'उत्रोण', 'माप', 'एक अपरगटीत काणी', 'मेट्रो बुलेटीन' - अश्या कांय काणियांनी आदर्शवान पात्रांतल्यान बऱ्या आदर्शांची प्रस्तुती जाल्या तरीय तांचे ते आदर्श पाळूंक आशिल्ली संद हो आयचो संवसार वा समाज तांकां दीना जावन आसा. जाल्यार ताच्यानूच ते हारले म्हूण जायना. तांचें आपलेंच अशें एक जैत, तांणी परतून चलतना लेगीत तांकां मेळटा. तश्या तांच्या परतून चलपांतल्यान स्पश्ट जाता म्हणल्यार ह्या संवसाराचें वा समाजाचें पोकळपणूच.

बऱ्या कूड्याची बरी जाण आसुनूय वैयक्तिक दुबळेपणांक लागून, चंचल मतीक लागून, 'सगल्यांनी चलपी वाट ती हीच!' म्हूण स्वताक भासोवन घेवपी पात्रांय ह्या पानांनी मेळटात. अखेर तांकां स्वताचेरूच लज दिसपी एक खीण, उज्यांत माड्डुयल्ले

वरी दिसपी एक खीण, तांगेले जिणेंत येताच. तेन्ना घडये आमकां आमचेच जिणेंतलें एक खंयचेंय खीण यादीर येवंकूय पुरो! 'जिण्ये सूत्र', 'रिणकारी', 'एका पिंदल्ल्या पानाची कथा', 'एके मऱ्यादेची काणी', 'देड हजार रुपया आनी दुबळिकाय', 'शीण' आदी कथा वाचतना, तशेंच 'शनी' ही काणी वाचतना, सर्गेस्त पी. जी. कामत हांगेले कवितेचें एक कडवें यादीर आयलें - 'हांवय तोच, तूवंय तोच!'

कायंच आदर्श नातिल्ले, दुश्ट, चालाकी, असलेय मनीश कांय पानांनी मेळटात. ह्या आमच्या संवसारांत जे तसले सुखी जीण जियेतात त्या प्रमाणान नात इतलेंच. 'सच का सामना', 'लक्ष्य', 'बोंबोयचो माम' अश्या थोड्या काणियांनी मेळचे हे मनीश म्हणल्यार, भायल्यान पळोवपाक जितले सुंदर, भितरल्यान तितलेच विद्रूप. 'बंध' काणियेंतल्या हृदयशून्य मनशाकूय ह्याच पंगडांत बसोवं येता.

प्रस्तावनेच्या रूपान बरोवंचीं हीं म्हजीं दोन उतरां मुखार चलून समीक्षात्मक जावंचेली गरज ना. पूण एक सांगन दिसता. कथानक, शैली, संवाद, फाटभूंय, पात्रचित्रण, असल्यांचें विश्लेषण, मापन, मूल्यांकन आदी करचे खातीर खंयच्याय समीक्षकाक स्वागत करपी अशें एक पुस्तक हें. तेंच न्हय, खंयचोय प्रामाणिक समीक्षक ह्या पुस्तका विशीं निरुत्साहित जावंचो ना हाची म्हाका खात्रीय आसा.

आतां साहित्य रसिकांक बाब वल्ली क्वाड्रस हांची हांवें वळख दिवपाची गरज ना. अजून कोंकणी साहित्यांत हांणी तोलामोलाची भर घाल्या, मौलीक रचनेंतल्यान घाल्या तशेंच साहित्य संपादनांतल्यान आनी पत्रिकोद्यमांतल्यान. राष्ट्रीय पावंड्यार कोंकणी साहित्याचे संकलित संग्रह तयार करून, आनी युवसाहित्यिकां खातीर साहित्यमत्सरां चलोवन, कोंकणी भाषेचें भविष्य उजळ करपा दिकान हांगेलो निरंत वावर बी आसा. अश्या तांगेल्या समस्त वावरांत तांकां परबीं सहित मना पासून यश आशंसितां.

श्री. वल्ली क्वाड्रस हांकां **मथायस कुटम कविता पुरस्कार** (2017) **विश्व कोंकणी कविता पुरस्कार** (2022) आदी खूब साहित्य पुरस्कार प्राप्त जाल्यात.

जीवन स्पंदनां.. जीवन दर्शनां..

(श्री. एन. बालकृष्ण मल्या हांगेल्या 'सत्याचीं किरणां' ह्या कविता संग्रहाक 2024 वर्सा बरयल्ली प्रस्तावना.)



कवी एन. बालकृष्ण मल्या म्हणल्यार ‘जीव संकल्प’ (2013) आनी ‘आत्मगत’ (2019) अश्या दोन प्रकाशीत कविता संग्रहांतल्यान हे आदींच कोंकणी कवितेक उल्लेखनीय योगदान दिवपी केरळचो प्रतिभावंत कोंकणी कवी. ‘गोवा कोंकणी अकादेमीचो साहित्य पुरस्कार’ (2020) आनी ‘श्रीमती सुशीला त्रिविक्रम भट स्मरणार्थ साहित्यकृती पुरस्कार’ (2023) जोडपी आपल्या ‘आत्मगत’ कविता संग्रहा उपरांत कवीचो हो नवो कविता संग्रह आतां उजवाडा येता आसा. ‘सत्याचीं किरणां’ नांवाच्या ह्या संग्रहांतल्या वैविध्यपूर्ण कवितां विशीं प्रस्तावनेच्या रूपान दोन उतरां सांगपाक सोदतां.

‘किरणां’ म्हूण आयकतना आमकां चड करून सुर्याची याद जाता. ताका लागून आमी हुनसाणीचो आनी उश्णतेचो विचार करतात. हाचे बदला आमी जरी चंद्राचो आनी चंद्रकिरणांचो विचार केलो जाल्यार आमकां ताची सोबीतकाय आनी शितळसाण याद जातली. कवी बालकृष्ण मल्यालीं कवनां वाचकाचें मन वा काळीज तापोवपाक सोदिनात. पूण तांचेर उजवाडाचो शिंवर जरूर घालतात. उजवाड म्हणल्यार सत्याचें आनी ज्ञानाचें मूर्तस्वरूप. काळोख हें अज्ञानाचें रूप, मायेचें स्वरूप. जंय उजवाड आसा थंय काळखाक सुवातूय ना आनी अस्तित्वय ना.

ह्या संग्रहांतल्या कांय कवनांनी जीवन दर्शनां लिकलिकतात जाल्यार इतर कांय कवनांनी जीवन स्पंदनां धडधडटात.

आपल्या वांट्याक आयलां तें स्विकारून ताच्यान समाधानी जावपा विशीं कवी सांगता (बरयल्यां कितें तितलेंच). मनशान आपल्या मनाच्या भ्रमांचे वयर जैत जोडपाक जाय अशी तो म्हणटा (भांगराचें चित्तळ). आमच्या हातांत गिन्यानाची पेटी आसून जायना, पेटयेची चावीय बी आसूंक जाय अशी याद दिता (प्रश्नांचो गोंदोळु). संवसार गिन्यानान भरिल्लो आसलो तरी तें गिन्यान आमकां मेळपाक जाय जाल्यार आमी तें सोदपाक जाय, अशी 'सत्याचीं किरणां' हे कवितेंत कवी स्पश्ट करता.

थोड्या कवनांतल्यान स्वताची कथा सांगपी कवी इतर थोड्या कवनांतल्यान जगाची व्यथा चितारता. 'सूत्रांत बांदिल्लो पुतळो', 'आतांय खंयीच पावलोना', आदी कविता वयले वयर आत्मचरित्रात्मक म्हूण दिसपी आसात तरीय तांकां सार्वत्रिकतायेचोय एक आयाम आसा. स्वताची कथा सांगपी अश्या कांय कवनांनी कवीचें व्यक्तिमत्व दिसता जाल्यार इतर कांय कवनांनी ताचें कवित्व वयर सरता. 'म्हजी काणी, तुमचीय' हें कवितेंत तर सर्जकाची आंतरकथाच वाचूंक मेळटा.

जगाची व्यथा म्हणल्यार ती तरातराची आसता. एकामेका कडेन उलोवंक विसरपी अशे मनीश (उलवूंक विसरलोलो मनीशु), खिणाक मेळून मागीर वेगळे जावपी अशे मनीश (अनवळखी), केरळांतल्या वायनाड हांगा जाल्लें भूस्खलन अरिश्ट (मुरडेल्लो आशा-रूक), अशी खूब कितें.

कांय कवनांनी देवाचो उल्लेख येतना तातूंत पारंपारीक भक्ती भावनां परस परमात्म्या वयलो अखंड विस्वास आनी श्रद्धा उठून दिसता. अश्यांत 'आयका देवा' सारक्या कवनांनी देवा कडेन केल्ली प्रार्थना मेळटा, जाल्यार इतर खूब कवनांनी ('म्हाका कोण आसा', 'तूं हास हासचाक', 'मौनाचीं उतरां' 'पटळ्येंतुलीं बावलीं', 'तूंवें म्हणल्यारी', आदी) देवा विशींचे वैविध्यपूर्ण उल्लेख आसतात. 'तोडोव' ही कविता तर 'भगवान के घर देर है अंधेर नहीं' हे म्हणीची याद दिवपी जावन आसा.

पुराणांतल्या घडितांचो उल्लेख येवपी आपल्या कवनांनी ('देवु एकलो मात्र जाणता', 'देवु खंय, विजयु थंय', आदी) ह्या प्रतिबद्ध कवीन मार्गदर्शक तत्वांक योग्य सुवात दिल्या. संक्षिप्तपणान सांगल्यार हीं कवनां प्रचोदन दिवपाक सोदतात, प्रकोपन करपाक न्हय.

संग्रहांतल्या कांय कवनांनी सैमाचो उल्लेख जाला. तण आनी झाड धरून मूंय, पारळी, शिल्लो, कावळो, कुंभार, गुरबजी, सवणें, चिमणी, पारवो, कोगूळ, घोण, काजूले, अश्या सगळ्यां कडेन कवीची इश्टागत आसा (म्हजे मित्र). तेभायर वारें, मेघ, रावळिकांचे गीत, अश्यांचो ताका सदांच सांगात मेळत आसा.

घराच्या मुखार आशिल्ल्या ओंवळा झाडाक कवीची विनम्र विनंती म्हणल्यार सकयल रावपी माणकुले तुळशी कडेन तुवें कृपा करून लक्ष दिवचें अशी (आंगणांतुली तुळस).

नितळ आनी निश्पाप सभावा खातीर मनशांनी सवण्यांची देख घेवंक जाय अशी कवीचें प्रामाणीक मत आसा (सवण्यांचें व्हडपण).

कवीन तागेल्या मायगांवा विशीं बरयलां (उक्कूळी, रंगाची पोट्टळी), पूर्वजां विशीं बरयलां (भूंय मातेचीं संतान), आवयभाशे विशीं बरयलां ('आमची कोंकणी', 'स्वर्गा पशी व्हडली भास'), आनी तशेंच भारत देशा विशींय बरयलां ('देवाली भूंय', 'देशाचो मंत्रु'). ह्या विशया वयल्या कवनांनी तागेली भोवच आपलेपणाची अशी भावना आमकां सहज पळोवंक मेळटा.

जाल्यार कवी हो हाडा मांसाचो मनीसूच आसता. तो सगळो वेळ सकारात्मक रावंक शकना. एकेकदां तो खूब निराश जाता. ह्या कवील्याय कांय कवनांनी अशें घडलां. हाचे आड एक केलां तें म्हणल्यार संग्रहाक समतोल दवरपी अश्या एक दोन विनोदी आनी अतिवास्तववादी कवितांचो आस्पाव.

हो कवी एक निश्ठावान वाचक म्हणपाचें तागेल्या कवनांतल्यानच आमकां कळून येता. 'आ नो भद्राः क्रतवो यन्तु विश्वतः' अशे तरेचे भावनेन तो सगळ्याय वटांनी स्फूर्तदिणे विचार स्विकारता. जाल्यार तो केन्नाच कोणाचेंच अनुकरण करीना. कवीचे विचार, भावना वा तत्वचिंतनां कांयच हेर कोणा कडल्यान नक्कल केल्ले नासतात. तेंच न्हय, तागेले दरेक कवितेंत आमकां कितें ना कितें नवें पळोवंक मेळटाय बी.

शाळेंत शिकच्या काळापासून कोंकणीची सेवा शुरू केल्ल्या ह्या कवीन ह्या फाटल्या एक दशकाच्या काळांतूच आवयभाशेच्या पांयांत आपले चार कविता संग्रह ओंपल्यात हें पळोवन आमकां अजाप जाता आनी काळजांत उपाट आनंद भोगता. ताका आमच्या सगळ्यांची तोखणाय आनी परबीं फावो. जावन गेल्ल्या म्हालगड्यांचो तर ताचेर सदांच आशिर्वाद आसा. हालींच पिरायेचो अर्द शेंकडो पुराय केल्ल्या कवी बालकृष्ण मल्याक तागेल्या जिणेच्या आनी साहित्याच्या मार्गांचेर मना पासून शुभेच्छा.

‘काळीज उसवलां’
एका संवेदनशील काळजाची उगडास भोंवडी

(श्री. उदय नरसिंह म्हांबरो हांगेल्या ‘काळीज उसवलां’ ह्या लेख संग्रहाचो हो पुस्तक परिचय ‘भांगरभूंय’ दिसाळ्यांत 13.11.2021 दिसा उजवाडा आयलो)

बाब उदय म्हांबरो हांची स्मरण शक्ती अजीबाची म्हणूंक जाय. तांची लेखन शैली तर सुंदर आनी आकर्शक हातूंत दुबाव ना. पन्नास वर्सां आदले वाठार, जीण आनी मनीस ह्या पुस्तकांत तेजवंत जावन उबे जातात. बरोवप्यान तांचीं बरीचशीं FULL-COLOUR AND HIGH RESOLUTION चित्रांच हांगा सादर केल्यांत. कितलीं घरां, घराबे आनी मनशां आमचे मुखार जितीं जिवीं जावन उबीं! केवल कांय पानांनी उबें केल्लें ‘मेटा वयलें घर’ आनी ‘मांय’ लेगीत तेजवंत! ह्या संग्रहांत आसात तीं केवल व्यक्तीचित्रणां न्हय, पूण व्यक्तित्वचित्रणां! आनी मागीर हातूंत परामर्शिल्लीं मनशांय बी स्पश्ट आनी तेजीश्ट व्यक्तित्व वा व्यक्तिमत्व आशिल्लीं मनशां. ‘बाबा’ जावं ‘आई’, ‘नानाकाका’ जावं ‘नारायण डांगी’, आमचे मुखावयले पिळगेक लेगीत प्रेरणा आनी आदर्श दिवपी मनशां हीं सगलीं. देखून आत्मकथात्मक म्हूण सांगूयेता तसलें हें पुस्तक प्रेरणेचेंय बरें एक साधन जावन आसा. हाडा मांसाचीं असलींय मनशां आशिल्लीं म्हणपाचें लेगीत फाल्याचे पिळगेक अजापाचें आसूंयेता. त्या मनशांनी अशे तरेन भोव समाधानी आनी सुखसंतोषाची जीण जगिल्ली म्हणल्यार मुखा वयले पिळगेक विश्वास बेसचोय ना घडये! ह्या लेखांतल्या कांय मनशांनी आपणाक प्रभावीत केल्ल्याचें रमेशबाब लाड बी सांगता (पुस्तकाचे प्रस्तावनेंत).

शिस्तबद्ध बाबा विशीं वाचतना खूब काळ आदीं वाचिल्ले एक कथेचो आनी तातूंतल्या मुख्य कथापात्राचो उगडास रोखडींच आयलो. बाब गुरुदास गोपाळ पै हांगेले एक प्रभावी कथेंतलो ‘उपीमाम’! एका काळार आमचीं मनशां आदर्शानूच घडयल्लीं आसलीं. तेन्ना आदर्श म्हणचे आंगांतले गूण कशे आशिल्ले. आयच्या काळार आदर्श म्हळ्यार केवल PACKING MATERIAL कशें.

बाब उदय नरसिंह म्हांबरो हांचो लेख संग्रह 'काळीज उसवलां' वाचून मना काळजांत आनंद भोगलो. वाचतां वाचतां म्हज्या मनमंडलांत पावला कणकणीं म्हगेलेंय भुरगेपण चड चड स्पश्ट जावन झळकत रावलें. लेखक उदयबाब म्हांबरो हांकां तांगेल्या अत्यंत आस्वाद्य अश्या ह्या उगडास भोंवडे खातीर काळजांतल्यान देव बरें करूं म्हणटां. खरें म्हळ्यार ह्या पुस्तकान म्हज्याय काळजाक एक नवेंचशें तरणेपण दिलां. म्हज्या मतान ह्या लेख संग्रहाक 'उगडास भोंवडी' हें विशेशण उचीत आसतलें, जशें तें आमकां आनी एक पुस्तकांत मेळटा - "तांचे विशीं.. म्हजेय विशीं.." ह्या सर्गेस्त माधवी सरदेसाय हांगेल्या अनन्य पुस्तकांत.

साधारण भोंवडे पासून ही 'उगडास भोंवडी' खूब वेगळी आसा. हातूंत बरोवपी ज्या एका वाठाराचें चित्र उबें करता आसा, जे एके जिणेची म्हायती दिता आसा, ज्या मनशांची वळख करून दिता आसा, तो वाठार, ती जीण आनी ते मनीस कोण आतां जशा तशें उरूंक नात. तो वाठार कसो आशिल्लो आनी ती जीण कशे आशिल्ली म्हूण आमच्यांनी खुद्द पळोवंकूय मेळना. सामान्य भोंवडेकारांक कोणाक अशें विवरण बरोवप शक्य आसचेंना. कितले जाणांक पन्नास वर्सां पूर्वीं केल्ले भोंवडे विशीं केवल उगडासांतल्यान आयज बरोवंक जातलें?

ह्या लेखकालो 'इंद्रधोणू उदेवं!' शीर्षक सुंदर आनी प्रसादात्मक कविता संग्रह हावें कांय म्हयने आदीं वाचिल्लो. संग्रहांतल्यो कविता सात्विक आनी प्रकाशपूर्ण म्हणूंयेतात तश्यो दिशिल्ल्यो आनी म्हाका त्यो खूब आवडिल्ल्यो. तातुंतूच 'हुंवार', 'इंद्रधोणू', 'उतरांचें मोल', 'फळ', 'बैलाचें मनीसपण', 'ख्यास्त', 'म्हजी कथा म्हजी व्यथा', 'ईन मीन तीन' आदी कविता म्हाका चड आवडिल्ल्यो. वाचतां वाचतां म्हज्या ल्हानपणांतलो एक उगडास आयिल्लो. तेन्ना म्हज्या घराब्याच्या सगल्याय आवश्याक घरचे बांयचें उदकूच उपेग करतालीं. ताचें उदक सगल्या कालाक मेळटालें आनी तें सदांच नितळ निर्मळ आसतालेंय. उदयबाबाल्या सरळ आनी सहज कवितांनी म्हजे मनांत ते म्हजे भुरगेपणांतले अक्षयपात्रा सारकेले बांयचे गोड रुचीक उदकाची याद हाडिल्ली!

प्रकृतीचो हो एक सभाव गूण म्हळ्यार शेतांत वा भाटांत आमी मुद्दाम बरें कितेंच रोवंक ना जाल्यार थांगा बेगीनूच नाका जाल्ल्या तणाचें रान जाता. मनशांल्या मनाचेंय कार्य समान. तातूंत वेळा वेळार बरे विचार आनी बरीं मुल्यां रोवपाची खूब गरज

आसता. म्हणुनूच ह्या सकारात्मक कविचें, प्रमाणीक लेखकाचें साहित्यीक योगदान खूब म्हत्वाचें आनी मोलादीक जावन आसा. हांची सकारात्मकताय आनी प्रसादात्मकताय दोनूय सहज आनी खरीं. अड्डेचीं वा कृत्रीम न्हय. लेखक स्वता कडेनूय प्रमाणीकूच रावला.

ह्या वेळार नमळायेन आनी आदरान सर्गेस्त रवीन्द्रबाब केळेकार हांचें नांव घेवपाचें हांव धाडस करतां. म्हाका दिसता कोंकणीच्या त्या अवतारी पुरसाक लेगीत एका संवेदनशील काळजाची ही उगडास भोंवडी मानवताली!

आतां खंयचेय उगडास भोंवडेंत सहज येंवपी एक आसा, कालच्या - आयजच्या विशींची तुळा. हातूंतय हांगा थांगा तश्यो तुळा येतातूच, पूण त्यो केवल गरजे पुरत्योच आसात. आनी हें तर म्हज्या मनाक बरें भावलें. ह्या पुस्तकांत आशिल्लें आनीक एक म्हत्वाचें कार्य म्हळ्यार मनशा मनशा मदल्या वेगळ्या वेगळ्या नात्यांचे गोड सुंदर उल्लेख. देखून उदयबाब म्हांबरो हांकां मनाकाळजांतल्यान परबीं दितना म्हाका खूब संतोष दिसता आनी समकालिक कोंकणी साहित्याचो अभिमान बी दिसता.

श्री. उदय नरसिंह म्हांबरो हांकां **विश्व कोंकणी कविता पुरस्कार** (2021), **गोवा कोंकणी अकादेमी साहित्य पुरस्कार** (2021), आदी खूब साहित्य पुरस्कार प्राप्त जाल्यात.



शरतचंद्र शेणै (जः1953)

केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो मुखेल पुरस्कार, विश्व कोंकणी कविता पुरस्कार, आनी डॉ. टी.एम.ए. पै अत्युत्तम कोंकणी पुस्तक पुरस्कार जैतवंत कवी, बहुविधा लेखक, भाशांतरकार आनी संपादक. केरळच्या एर्नाकुलम शारांत जन्म. केरळ विद्यापीठा कडल्यान बी.एस.सी. पदवी आनी मंगळूरु साकून कोंकणी साहित्यांत पदव्युत्तर डिप्लोमा. कॅनरा बैंकांत तीस वर्सांची सेवा करून, अधिकारी आसतना सेवानिवृत्ती.

काव्य कृती - अंतरनाद (1997) / आत्मायन (2007) / गीत सरोवर (2012) / गोश्रीपुरेश भजनामृत (2015) / श्रीकृष्णकथासुधा (शतक काव्य) / इदं न मम (2017) / कवी आनी कविता (E-Book) / सकाळचीं सवणीं (E-Book) / गुरुवचनसुधा (शतक काव्य) / अंतरनाद (रुप्योत्सवी आवृत्ती)

गद्यकृती - लोकधन (निबंद) / अनिश्चित (नवलिका) / परणें घर (बालसाहित्य) / रसिक रसायन (निबंद) / रंगभूमी (नाट्यसंग्रह) / साहित्य आस्वाद (E-Book)

भाशांतर - मीरा, जीवन आनी कवन (1987) / श्रीकृष्णकर्णामृत (जोडलेखक) / श्रीवेंकटेशसुप्रभात (2004) / Script, a Scientific Contemplation (2015) / Saga of the Uprooted (2019) / अग्नीसाक्षी (2021) / सामाजिकनीतिकाव्यगुच्छः (2021) / गोंयांत जाल्लें धर्मांतर, कथा आनी व्यथा (2023) / बाबान जल्मल्लें घर (2024). हाचे भायर कोंकणींतल्यान दोन पुस्तकां मलयाळम भाशेंत अणकारल्यांत.

शिक्षण पुस्तकां - कोंकणी बरयतना (जोडलेखक) / Konkani Bhasha Pathana Sahayi (2012) / Konkani Nammude Mathrubhasha (2012) / अक्षरगीता (2014) / Malayalam Konkani Kriyapadavali (2014) / A Handbook for writing better Konkani (2015) / कोंकणी सचित्र प्राथमिक (2018)

संपादीत संग्रह - साहित्य संकलन (1995) / काव्योद्यान (1999) / साहित्यदीप्ति (2005) / नंदादीप (2011) / उकत्या मळबाखाला (2024)

संपर्कः Saratchandra Shenoi, 'Gokul', 18 / 535 - A,
Ayappa Seva Sangham Road, Palluruthy, Kochi - 682006
Website: www.saratchandrashenoi.com
WhatsApp: 9495093380 / 9495012208
E-Mail: saratchandrashenoi@gmail.com